मन समर्पित, तन समर्पित, और यह जीवन समर्पित,

चाहता हूँ देश की धरती, तुझे कुछ और भी दूँ।

विकसित भारत 2047 च्या दिशेन वाटचाल करपी भारत देशाच्या हावेसाक बळगें दिवपी गोय राज्याच्या फुडाराचो वेध घेवपी अर्थसंकल्प सादर करताना म्हाका खूप खोस भोगता!

आमचे यशस्वी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी-जी हांच्या फुडारपणाखाला देश साधनसुविधा विकास आणि व्यक्ती-विकासाचे नवे मापदंड प्रस्थापित करताना आमी पळयतात. तांचे निरंतर मार्गदर्शन आणि भक्कम साथ हांच्या बळग्यार जण एकलो गोंयकार केंद्र आणि राज्य  अश्या डबल-इंजिन सरकारच्या अभूतपूर्व कामगिरीचो प्रत्यक्ष अणभव घेता.

आमच्यो महिला-भगिनी, आमचे युवा, आमचे शेतकरी, आमचे दिव्यांगजन, विद्यार्थी, तशेंच गोंय राज्याच्या बऱ्या आणि Green फुडाराखातीर कार्यरत जण एकल्या गोंयकाराच्या इच्छा आकांक्षांक न्याय दिवपी, अंत्योदय-सर्वोदय-ग्रामोदय हाचे भान राखपी आणि ‘स्वयंपूर्ण गोंय’ ह्या संकल्पनेक बळीष्ट करपी अर्थसंकल्प पुराय गोयच्या जनतेक समर्पित करपाक हांव उबो आसा.

सभापती महाशय, ह्या पवित्र सभाघरांत सलग सातवे फावट अर्थसंकल्पीय भाषण करपाची म्हाका संद मेळळ्या आणि सांगपाक खोस भोगता की हावे गोयच्या जनतेक दिल्ल्या आश्वासनांची “शत प्रतिशत” पूर्तता करपाचो प्रामाणिक यत्न केला !

“<u>लोकशक्तिर्वीशिष्यते</u>”-***Power To The People;*** ही भावना अधोरेखित करपी आणि गोंय राज्याक विकासाच्या मार्गार गतिमान करपी म्हज्या सरकाराचे विविध धोरणात्मक निर्णय; विकसित गोंय- विकसित भारत 2047 साध्य करपाच्या नदरेन आकार घेताना पळोवन मनाक थाकाय मेळटा.

तमाम गोयकारांच्या सपनातलें भांगराळे गोंय; भारत देशाच्या पटलाचेर पयलें “विकसित राज्य” म्हण साकार जावचें ह्याखातिर तयार जावपी **“Vision Document”** आणि **“Action Plan”** हांचे ह्याच वर्सा लोकार्पण करपाचो आमचो हावेस आसा. हाच्या नियोजनबद्ध अंमलबजावणीतल्यान निर्धारित उद्दिष्टां 2030 वर्सा मेरेन साध्य करून  2037 वर्सामेरेन “विकसित गोवा” ही मोख निर्धारित मर्यादेच्या धा वर्सा पयलींच साध्य करून एक विक्रम प्रस्थापित करपाचे आमी थारायलां.

सभापती महाशय, ह्या वर्साखातीर म्हज्या बजेटांत **Tourism** क्षेत्रांत **infrastructure development**, **Renewable Energy** वापरपाक प्रोत्साहन, Easing Public Transport, सार्वजनिक स्वच्छता, 100% Literacy, Swayampurna

Goa आणि जनतेक Faster Delivery of Public Services ह्या क्षेत्रांचेर विशेष भर दिवपाची मोख आसा.

सभापती महाशय, म्हज्याखातिर बजेट भाषण आणि आर्थिक नियोजन म्हळ्यार आकड्यांचो खेळ नासून ती एक निरंतर चलपी शिस्तबद्ध प्रक्रिया जावन आसा. म्हज्या सरकारान घेतिल्ल्या दूरदृष्टीपूर्ण धोरणात्मक निर्णयांच्या आणि काटेकोर आर्थिक नियोजनाच्या परिणाम स्वरूप "नीती आयोग" च्या "State Fiscal Health Index Evaluation" अंतर्गत पुराय देशांत गोंय तिसऱ्या स्थानार आसा!

## FISCAL PROFILE

Speaker Sir, I present an overview of the fiscal profile of the State Government!

The GSDP at current prices for the year 2025-26 is projected at Rs.1,38,624.86 crore with a growth rate of 14.27%. Goa's per capita is projected to be Rs. 9.69 lakh for the year 2025-26, portraying a robust and healthy economy.

Speaker Sir, the estimated receipts for the F.Y. 2025-26 are projected at Rs. 27,993.97 crores showing a rise of 13.02 % over R.E. 2024-25. The total gross expenditure is estimated to be Rs. 28,162 crores of which Rs. 20,299 crores is towards Revenue Expenditure and Rs. 7,863 crores is towards Capital Expenditure. In F.Y. 2025-26, there is heavy repayment of principal amount of Rs. 1,504 crore of Open Market Borrowings done ten years earlier which is an additional Rs.704 crore rise from the repayment of Rs. 800 crore done in FY 2024-25.

Speaker Sir, I am pleased to announce that due to 'Double Engine Sarkar', we were able to get 'Special Assistance for Capital Investment' to the extent of Rs. 1,520 crores from Government of India in F.Y. 2024-25, which is highest in the history of the State Government. The same trend is expected to continue in this financial year also.

Speaker Sir, the effect of various fiscal reforms undertaken by my Government are visible in the audit reports compiled by CAG every year. We have ended F.Y. 2023-24 on Revenue Surplus of Rs. 1,423 crores and have been able to achieve majority of the targets set under Fiscal Responsibility Budget Management Act. The revenue surplus is projected at Rs. 2,403 crores in F.Y. 2025-26. Further the ratio of the total outstanding

Debt to GSDP has also seen a declining trend due to strict debt sustainable policy adopted by my Government.

Speaker Sir, the Union Finance Commission for the year 2025-26 has capped the Fiscal Deficit to GSDP ratio at 3.5%. Further, the Finance Commission has also allowed un-utilized borrowings to be carried forward in the next financial year. This year we have borrowed only Rs. 1,050 crores as on date from the open market as against the limit of Rs. 4,500 crores. Fiscal Deficit for F.Y. 2025-26 is estimated to be Rs. 2,826.44 crores which is well within the limits prescribed by the 15th Finance Commission.

## GENERAL ADMINISTRATION AND COORDINATION

सभापती महाशय, General Administration विभागासाठी 174.99 कोटी रूपयांची तरतूद केली आहे .

सभापती महोदय, सरकारी कर्मचाऱ्यांना निवृत्ती नंतर खात्रीशीर पेन्शन देण्यासाठी माझे सरकार 2025-26 या आर्थिक वर्षापासून 'Unified Pension Scheme' लागू करेल ज्यामुळे निवृत्त कर्मचाऱ्यांना सरासरी मूळ पगाराच्या 50 टक्के रक्कम मिळेल आणि त्यामुळे त्यांना खात्रीशीर Family Pension, Assured minimum pension, inflation indexation आणि post-retirement gratuity असे विविध फायदे मिळतील.

सभापती महोदय, पुढील आर्थिक वर्षापासून संबंधितांना पेन्शन Agency Banks तर्फे न देता, थेट Treasury मधून देण्यात येईल. यामुळे पेंशन चा लाभ विनाविलंब मिळेल.

सभापती महाशय, यंदापासून मडगांव येथील 'दिंडी उत्सव' आणि शिरगांव येथील 'देवी लईराई ची जत्रा' यांना State Festival चा दर्जा देऊन भाविकांना आवश्यक त्या सोयी-सुविधा देण्याचे आम्ही निश्चित केले आहे.

सभापती महोदय, प्रशासनिक अधिकारी, स्वयंसहाय्य गट, लोकप्रतिनिधी इत्यादींना वेळोवेळी दर्जेदार प्रशिक्षण मिळावे यासाठी Ela-ओल्ड गोवा स्थित Goa Institute of Public Administration and Rural Development साठी नवी इमारत बांधकाम, पायाभूत सुविधांचे निर्माण आणि प्रशिक्षण कक्षांची सजावट इत्यादी कामासाठी 17.68 कोटी रुपये खर्च अपेक्षित आहे.

सभापती महोदय, पुण्यभूमी अयोध्या येथे भेट देणाऱ्या यात्रेकरूंसाठी निवास सुविधा निर्माणाच्या हेतूने अयोध्येत "गोवा राम निवास" बांधकामासाठी 26.05 कोटी खर्चून 3,801.86 sq. mts भूखंड घेण्याची प्रक्रिया सुरू झाली आहे. नवी दिल्लीतील "गोवा निवास" आणि "गोवा सदन" दोन्हींच्या नूतनीकरणाचे काम या वर्षी हातात घेतले जाईल. जुहू मुंबई येथील सुधारित "गोवा भवन" चे लोकार्पण

झाले आहे आणि आता “बेलापूर, नवी मुंबई” येथील “गोवा भवन” निर्माणाचे कामही लवकरच सुरू करण्याची प्रक्रिया मार्गी लागली आहे.

सभापती महोदय, 15.90 कोटी खर्चून मिरामार येथील स्व. भाऊसाहेब बांदोडकर समाधीचे नुतनीकरण कार्य सुरू झाले आहे आणि कालबद्ध पद्धतीने ते 2026 साली पूर्ण करण्याचे प्रयत्न आहेत.

## PERSONNEL

सभापती महाशय, म्हजे नदरेक आयलां की सद्याच्या recruitment rules प्रमाण खाजगी आस्थापनांतल्यान अणभव प्रमाणपत्र आसप गरजेचें आसल्या कारणान तशेंच कांय खाजगी आस्थापनां अशा प्रकारचें प्रमाणपत्र दिवपाक पात्र नासल्यान, कांय उमेदवारांक LDC पदाखातीर अर्ज करपाक मेळना. गोंयच्या तरणाट्यांचो हो विशय सुटावो करपाखातीर हांव recruitment rules भितर बदल करून सगळे उमेदवार जांचेकडेन खाजगी क्षेत्रांतलो एक वर्स वा चड अणभव आसा तांकां सरकारी नोकऱ्यांखातीर अर्ज करपाक पात्र करपाचें प्रयोजन करतलो.

Speaker Sir, I propose to take the massive exercise of revision of Recruitment Rules of various posts in the Government with the latest advances in educational courses and various new degrees offered by educational institutions. A national level institute will be engaged to recommend suggestions for bringing out reforms in administration and delivery.

सभापती महाशय, प्रशासनाभितर शिस्तबद्धता हाडप आणि सरकारी खातीं तशेंच महामंडळाच्या कारभारांत पारदर्शकता हाडपाच्या नदरेन हांव CA, CS तशेंच Cost Accountants हांच्या केंद्रीय संस्थांनी थारायल्ल्या शुल्कानुसार तांचे empanelment करपाचो प्रस्ताव दवरतां.

## MISSION KARMAYOGI

सभापती महोदय, अर्थिक वर्स 2025-26 सावन ‘Mission Karmayogi’ हे येवजणेखाला दर एका सरकारी कर्मचाऱ्याचे कार्यक्षमतेत वाड करपाखातीर, दर एका सरकारी कर्मचाऱ्याक ‘iGOT Karmayogi’ हाचेर कमीत कमी एक प्रशिक्षण अभ्यासक्रम करचो पडटलो जो कर्मचाऱ्याच्या कामाचें मुल्यांकन करपाखातीर ताच्या APAR त नमूद करप गरजेचें आसतलें.

## GHRDC

सभापती महाशय, आनीक 4,000 नवे कर्मचारी घेऊन GHRDC वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी स्थानिक मनीसबळाच्या वापराचो  विस्तार करतले. To promote Goan

Security guards in the private sector, the scope of GHRDC will be expanded to cater to the private sector. Such guards will be paid remuneration at par with GHRDC rates with contribution from the Government.

त्याभायर निर्धारित वर्सां काम केल्ल्या कर्मचाऱ्यांक GHRDC तर्फे बोनस maternity leave, fee reimbursement for graduation अश्या प्रकारचे लाभ मेळटले.

## STAFF SELECTION COMMISSION

सभापती महाशय, सरकारांत पारदर्शक तरेन नोकरभरती करपाच्या नदरेन म्हज्या सरकारान Staff Selection Commission स्थापन केलां. ह्या निर्णयाचे सगळ्यांनी स्वागत केलां. ही भरती प्रक्रिया अशीच पारदर्शक आणि गुणवत्ता आधारित पद्धतीन चालू दवरून ह्याफुडे सगळ्या सरकारी खात्यांतली नोकरभरती compulsory Staff Selection Commission च्या माध्यमातल्यान fast track पद्धतीन जातली.

## GOA PUBLIC SERVICE COMMISSION

सभापती महाशय, Goa Public Service Commission खातीर Rs. 15.95 crore आर्थिक तरतूद केल्या.. GPSC चे नव्या आणि प्रशस्त इमारतींत स्थलांतर करपाचोय आमचो हावेस आसा.

## PLANNING, STATISTICS AND EVALUATION

सभापती महाशय, Department of Planning, Statistics and Evaluation खातीर Rs. 54.79 crores आर्थिक तरतूद केल्या.

## CM FELLOWSHIP PROGRAMME

सभापती महोदय, गोंयातल्या विद्यार्थ्यांमदीं Research and Development मानसिकता वाडोवपाखातीर, हांव गोंयातल्या multinational कंपनीतल्या Research and Development विभागांत काम करपी गोंयातल्या लोकांखातीर 'CM Fellowship Scheme' वाढोवपाचो प्रस्ताव दवरता. या येवजणेवरवीं, कंपनीत Research and Development division नियुक्त केल्ल्या गोंयच्या internsच्या स्टायपंडाचो कांय भाग सरकार फारीक करतलो. तेखातीर 4 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

## AADHAR

सभापती महाशय, राज्यांत 110 Permanent Aadhaar Enrollment Stations चें जाळे निर्माण करून आमी 103% आधार नोंदणी साध्य केल्या. 100% Direct

Benefit Transfers हाची मोख साध्य करपाक आमी सगळ्या सरकारी योजनांचे पैशे Aadhar Payment Bridge System मार्फत लाभार्थींच्या Aadhar seeded बँक खात्यांत जमा करतले. हातुतल्यान सुरक्षित, सुटसुटीत आणि पारदर्शक पद्धतीन लाभार्थींक योजनांचो लाभ मेळटलो.

## GOA CSR AUTHORITY

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारान Goa CSR Authority तयार केलें जाच्या माध्यमातल्यान कॉर्पोरेटांक तांच्या सीएसआर निधींक चालना दिवप सहज शक्य जाता. शिक्षण, बायलां सशक्तीकरण, skilling आनी भलायकी ह्या मळार फाटल्या 2 वर्सांत 16.17 कोटी रुपया इतले प्रकल्प मेळोवपाक Goa CSR Authority येसस्वी जाला आनी ताचो फायदो 4.15 लाख लोकांक मेळा.

## SUSTAINABLE DEVELOPMENT GOALS

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारच्या स्वयंपूर्ण गोवा कार्यावळीच्या माध्यमातल्यान विविध योजनांचो योग्य प्रचार-प्रसार जाल्ल्यान गोय राज्याच्या SDG अंतर्गत गुणांचेर सकारात्मक परिणाम जाला. **As per the SDG Index 2024, released by NITI Aayog, Goa has maintained its 4th position securing composite score of 77 and bagged a position in the category of 'Front Runner'.** म्हजे सरकार Special Task Force स्थापन करून वर्स 2028 मेरेन सगळे SDGs साध्य करपाचो हावेस बाळगून आसा.

## EDUCATION SECTOR

## SCHOOL EDUCATION

सभापती महोदय, School Education खात्या खातीर 2,100 कोटी रुपयाची तजवीज केल्या. Sustainable Development Goals अंतर्गत एक महत्वाचो मापदंड आसपी साक्षरता ह्या बाबतींत आमचे राज्य '100% Literacy' ही मोख साध्य करपाक सज्ज आसा.

सभापती महोदय, राज्यभरांत 442 वयर शाळांनी कोडिंग आनी रोबोटिक्स येवजण (CARES) यशस्वीपणान चालीक लायल्या. हें जाहीर करपाक म्हाका खोस जाता की 24 गोंयकार विद्यार्थी International BEBRAS competition on Computational thinking ह्या आंतरराश्ट्रीय सर्तीत देशांत पयल्या 50 क्रमांकांत आसात. हे येवजणेचो सकारात्मक परिणाम मतींत घेवन CM-CARES हे येवजणेखातीर 2025-26 ह्या वर्सा अर्थसंकल्पीय तरतूद वाडोवन ती 19.91 कोटी

केल्या. हाचेखाला 2 Centres of Excellence आनी 12 तालुक्यांनी Proctored Test Centers स्थापन करतले.

सभापती महोदय, 'मुख्यमंत्री कौशल्य सहाय येवजण' सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हे येवजणेवरवणी Apparels, Home furnishing, Beauty and Wellness, Agriculture आनी automobile ह्या कोर्सानी बारावेंत NSQF पास केल्ल्या दर एका विद्यार्थ्याक रू. 20,000 रूपायांचे accessory kits वांटप जातलें. स्वयं रोजगार मेळचो तशेंच आपली कुशळटाय वापरून उत्पन्न मेळोवचें हो हे येवजणेचो हेत आसा. आपली कुशळटाय वापरून रोजगार मेळपाक मजत मेळटली अशा वस्तूंचो ह्या किटांत आसपाव आसतलो.

सभापती महाशय, ल्हान भुरग्यामदिं e-learning तशेच तंत्रज्ञानाविशिं आवड निर्माण जावची म्हण हांव Government Middle School च्या प्रत्येक वर्गांत Laptop दिवपाचें जाहिर करतां. तशेच, आमी सगळ्यो शाळेच्यो लॅब अपग्रेड करतले.

सभापती महाशय, वयोमर्यादा सोपिल्ल्या बालरथ बशिंक पर्यायी व्यवस्था दिवपी येवजण आमी ह्या वर्सासावन चालीक लायतले. गोंयभरांतल्या शाळांच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो दर्जो वाडोवपा खातीर शिक्षण खात्याक 74.21 कोटी रुपया capital outlay दिला.

सभापती महाशय, Rs. 200 crores खर्चून सगळ्या सरकारी शाळांच्या दुरुस्तीची कामां ह्या वर्साच्या monsoon सुरू जावचे पयलीं पूर्ण जातली.

## HIGHER EDUCATION

सभापती महोदय, अर्थिक वर्स 2025-26 खातीर Higher Education खात्याक 700.00 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. गोंय राज्यांत नवे अभ्यासक्रम दिवपी नव्या शिक्षणीक संस्थांक म्हजें सरकार गरजेचो सगळो आदार दितलें

सभापती महोदय, राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (NEP 2020) चे नदरेन गोंय उच्च शिक्षणांत NEP 2020 चालीक लावपाक राज्य देशांत खूब मुखार आसा. हाका लागून बहुविधा आनी समग्र शिक्षणाक चालना दिवपाखातीर म्हजें सरकार 'Cluster University' स्थापन करपाचो प्रस्ताव मांडटा, जंय जायतीं Colleges एकठांय येवन संवसारीक दर्जाचें पुराय विद्यापीठ तयार जातलें.

सभापती महाशय, internship आतां compulsory शिक्षणीक पदवीचो महत्वाचो भाग जातली. फुडल्या शिक्षणीक वर्सा सावन internship phase-wise पद्दतीन अंमलबजावणी करतले. हाचो एक भाग म्हूण दरेक विद्यार्थ्याक पदवी मेळोवचे पयलीं internship करची पडटली. गोंय राज्यांतल्या वेगवेगळ्या शिक्षणीक संस्थांनी मुळावी बांदावळ आनी सुविधा विकसीत करपाच्या मळार म्हजें सरकार

मुखार आसा. ह्यो शिक्षणीक संस्था गिन्यान, कला, इतिहास, संस्कृताय, परंपरा आनी नवनिर्माण हांचे खातीर केंद्र म्हूण वावुरतल्यो. म्हाविद्यालयांनी Skill Development, incubation and Startup cells स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाका लागून तांकां Research, Innovation and Entrepreneurship खातीर केंद्र जावंक मेळटलें.

सभापती महोदय, Goa State Research Foundation च्या माध्यमांतल्यान ''Traditional Occupations and Skills: Documentation and Research for Improving Local Livelihoods (TOS-DRILL)' अशी नवी येवजण सुरू करपाची म्हज्या सरकाराचो प्रस्ताव आसा. गोंयांतल्यो पारंपारीक पद्दती सांबाळप, दस्तावेजीकरण आनी तांचें पुनरुज्जीवन करप हो हे येवजणेचो हेतू आसतलो.

महोदय, हें वर्स व्ही. गायतोंडे आनी एफ.एन. सौझा ह्या दोन व्हड गोंय कलाकारांचें जल्म शतवार्षिक वर्स आशिल्लें. तांच्या सन्मानार्थ गोंय कला म्हाविद्यालयांत "गायतोंडे-सौझा" chair स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हाका लागून गोंय राज्यांतल्या कला शिक्षणाचो दर्जो वाडटलो.

महोदय, भारतीय गिन्यान पद्दतीचें पुनरुज्जीवन, संशोधन आनी प्रचार करपा खातीर 'भारतीय ज्ञान परंपरा कक्ष' स्थापन करपाचें हांव जाहीर करता. खगोलशास्त्र, वैजकी, परंपरा, कला, वैदिक गणित आनी हेर विशयांचेर संशोधन करप तशेंच गोंयच्या संदर्भांत गिन्यानाचो हो खजिनो तयार करप हे सगळे विशय ह्या कक्षाभितर आस्पावित करतले. Western Ghats देगेवयल्या वनस्पतींचें अतुलनीय गिन्यान आशिल्ल्या सतराव्या शेकड्यांतल्या 'Hortus Malabaricus (the Garden of Malabar)' ह्या ग्रंथाच्या 12 खंडांचो अणकार करप हें ह्या उपक्रमाचें मुखेल काम आसतले. तशेंच गिरेस्त गोंयचे परंपरेचेर आदारीत आशिल्लो 'आदलें गोंय' नांवाच्या प्रकल्पाचें काम ह्या उपक्रमाखाला पुराय जातले.

सभापती महोदय, राज्यांत चालीक लायिल्लो केंद्रीय प्रायोजीत प्रकल्प 'Pradhan Mantri Uchchatar Shiksha Abhiyan (PM-USHA)' चालूच उरतलो. हे येवजणे खाला राज्यांतल्या वेगवेगळ्या शिक्षणीक संस्थाखातीर म्हजें सरकार आनीक पायाभूत सुविधा प्रकल्प बांदतलें जाका लागून रू. 100 कोटींची तजवीज केल्या. Goa College of Art आनी Theater College हांका strengthen करपाचो प्रस्ताव आसा.

## TECHNICAL EDUCATION

सभापती महोदय, Technical Education खात्याक 119.99 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती सर, ‘DJ-GIFT’ येवजण जाका लागून तंत्रीक अभ्यासक्रम घेवपी हजारांनी विद्यार्थ्यांक फायदो जालो ती येवजण 2025-26 ह्या अर्थिक वर्साय चालू उरतली आनी तेखातीर रू. 35.20 कोटींची तरतूद केल्या.

गोंय फार्मासी कॉलेज, गोंय फाइन आर्ट्स कॉलेज, गोंय आर्किटेक्चर कॉलेज आनी गोंय म्युझिक कॉलेज अशीं चार मुखेल सरकारी म्हाविद्यालयां सामावून घेवपा खातीर पणजी लागसार Mega College Campus बांदपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

Indian Plumbing Associationच्या पालवान Goa Engineering College हांगा इंटरनॅशनल plumbing प्रॅक्टीसे खातीर ‘Centre of Excellence’ स्थापन झातले जाचो वट्ट खर्च 5 कोटी रुपया आसा.

## SKILL DEVELOPMENT AND ENTREPRENEURSHIP

सभापती महोदय, Skill Development and Entrepreneurship खात्याक 103.99 कोटी रुपया राखून दवरल्यात.

सभापती महोदय, गांवगिऱ्या वाठारांतल्या तरणाट्यांक कुशळटाय प्रशिक्षण आनी उदरगत सेवा दिवपाच्या हेतान म्हजें सरकार "Skills on Wheels" कार्यावळ सुरू करतली. गरजेचीं साधनां, तंत्रज्ञान आनी शिकोवपाची सामुग्री आशिल्लें मोबायल युनिट गोंयभरांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी फिरून हीं साधनां कशीं हाताळप हाचें प्रशिक्षण दितले. ह्या उपक्रमा खातीर 2 कोटी रुपयाची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, सांगपाक अभिमान दिसता की National Apprenticeship Scheme अंतर्गत म्हज्या सरकारान राज्यांतल्या तरनाट्यांक apprenticeship training दिलें. सध्या 4,000 apprentices सरकारी क्षेत्रांत आणि 7,000 apprentices खासगी क्षेत्रांत अशे मेळून 11,000 apprentices कार्यरत आसात. म्हजे सरकार राज्यांत PM internship scheme चालिक लावपाक कटिबद्ध आसा. ह्या माध्यमातल्यान गोयांतल्या पदवीधर तशेच College Dropout तरणाट्यांक 500 प्रतिष्ठित कंपन्यांनी Internship च्यो संधी निर्माण जातल्यो आणि तांची रोजगारक्षमता वाढटली.

तरणाट्यांची skilling, reskilling and upskilling जावची ह्या हेतान ‘मुख्यमंत्री कौशल्य पथ येवजणे’ खाला 2 कोटी रुपयाची तजवीज केल्या. तशेंच सांजवेळाच्या सत्रांत बायलां खातीर वेगवेगळे part-time skill अभ्यासक्रम सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. गोयच्या तरनाट्यांची Hospitality and Tourism क्षेत्रांत रोजगार क्षमता वाढोवपाच्या नदरेन म्हजे सरकार ह्या क्षेत्राखातीर नवे कौशल्य आधारित कोर्स सुरू करतलें.

अंदाजे 8.94 कोटी रूपया खर्चून काणकोणांत जावपी ITIच्या नव्या इमारतीचें काम जून 2025 त पुराय जावपाची शक्यताय आसा.

सभापती महोदय, M/s Tata Technologies Limited च्या Center of Excellence खाला दिवचले, म्हापसा, फर्मागुडी, वास्को आनी काकोडा हीं पांच सरकारी ITI केंद्रां Center of Excellence म्हूण अपग्रेड करतले. ह्या केंद्रांनी नव्या युगांतले गरजेचे आशिल्ले वेगवेगळे अभ्यासक्रम जशे Internet of Things, 3D printing, Electric Vehiclesआदी हांचो आस्पाव जातलो. ह्या अभ्यासक्रमांखातीर बेगिनांत बेगीन प्रशिक्षण सुरू जातलें आनी तेखातीर 10 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, म्हजें सरकार काकोडा Government ITI हांगा 5.98 कोटी रूपया खर्चून Battery Electric Vehicle टेक्निशियन हो नव्या युगाचो अभ्यासक्रम उपलब्ध करून दिवपाखातीर नवी इमारत बांदपाची प्रक्रिया चालीक लायतले.

## FINANCE

सभापती महोदय, अर्थ खात्याक दिल्लें वाटप 596.50 कोटी रुपया इतले आसात.

Speaker Sir, I would like to inform this House that the total allocation under Tribal Sub Plan to multiple departments is Rs. 1,480.34 crores which is almost 15% of the total developmental and welfare outlay of this budget.

## ECONOMIC DEVELOPMENT CORPORATION (EDC)

सभापती महोदय, 'नोकरी सोदपी' न्हय तर 'Entrepreneur' आनी 'नोकरी दिवपी' जायात असो सल्लो दित दर एका गोंयकाराक स्वयंपुर्ण करपाचो म्हज्या सरकाराचो सदांच यत्न आसता. गोंय राज्यांतल्या तरणाट्यांक उद्देजकता शिक्षण दिवपाखातीर म्हज्या सरकारान Entrepreneurship Development Institute of India संस्थे वांगडा MoU केला जे गोंयांत उद्देजकता जागृताय कार्यावळी घडोवन हाडटले.

होच उपक्रम फुडें व्हरून 'मुख्यमंत्री स्वयं रोजगार' येवजण सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हे येवजणे अतर्गत राज्यांतल्या तरणाट्यांक उद्देजकता विकास कार्यावळी आनी प्रशिक्षण दिवपाखातीर 2.50 कोटींची तजवीज केल्या.

## INFRASTRUCTURE SECTOR

सभापती महोदय, मंजूर केल्ल्या कामांक कळाव लागिल्ल्यान चड खर्च जाता आनी हाचेर आळाबंद हाडपाखातीर थारावीक Timeline चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हाका लागून अर्थिक वर्साच्या सुरवेक कांय म्हयन्यां खतिरूच

Expenditure Sanction दितले आनी उरिल्लो वेळ, खातीं ह्या कामांची अंमलबजावणी करपाखातीर वापरतलीं. हाका लागून कामांचें योग्य नियोजन खूब आदींच करपाक मेळटलें तशेंच बेगीन अंमलबजावणी करपाक मेळटली.

ह्या अर्थिक वर्सासावन दर एका आमदाराखातीर वेगवेगळ्या खात्यां कडल्यान/म्हामंडळांकडल्यान दर वर्सा अंमलबजावणी जावपी सुमार 100 कोटींच्या प्रकल्पांक मंजुरी दितले.

## GSIDC

सभापती महोदय, GSIDCचे Annexure-A प्रमाण सकयल दिल्ले प्रकल्प पुराय जावपाचे वाटेर आसा आनी तांचें अर्थिक वर्स 2025-26 त उक्तावण जातलें.

ANNEXURE - A

| Sr. No. | Name of the project/ work | Cost of the work |
|---|---|---|
| 1 | Construction of new hostel block for IPHB | Rs.26.42 Cr |
| 2 | Construction of Primary Health Centre, Candolim, Goa | Rs.16.47 Cr |
| 3 | Reconstruction of Government Primary School at Bhoma, Ponda, Goa | Rs. 2.85 Cr |
| 4 | Construction of Hostel to accommodate Post Graduate (MDS) students of Goa Dental College & Hospital, Bambolim, Goa | Rs. 11.13 Cr |
| 5 | Demolition & re-construction of Margao Government ITI and Government Multipurpose Higher Sec. School Phase I | Rs. 5.27 Cr |
| 6 | Construction of Hostel at Government College of Arts, Science & Commerce at Khandola | Rs. 5.69 Cr |
| | Total | Rs. 67.82 Cr. |

सकयल दिल्ले प्रकल्प आर्थिक वर्स २०२५-२६ भीतर चालिक लागतले:

| Sr. No | Name of the Project/Work | Cost of the Project |
|---|---|---|
| 1. | Construction of new hospital block in place of existing hospital for IPHB | Rs.70.00 Cr |
| 2. | Curchorem Bus stand Phase II | Rs.40.00 Cr |
| 3. | Upgradation/ Reconstruction of PHC, Betki in Priol Constituency | Rs.25.00 Cr |

| | | |
|---|---|---|
| 4. | Renovation/Beautification of the Police Headquarters Complex and surrounding area of PHQ Panaj | Rs.46.00 Cr |
| 5. | Construction of bridge at Sonal Tar Sanvordem in Sattari Taluka | Rs.32.00 Cr |
| 6. | Construction of the new Museum building of Goa State Museum. | Rs.22.00 Cr |
| 7. | Construction of new Government Higher Secondary and Government High School building at Khandola Marcela | Rs.20.00 Cr |
| 8. | Construction of Multipurpose Panchayat Complex at Pilerne, Goa | Rs.15.00 Cr |
| 9. | Construction of Pirna Village Panchayat Complex at Talap Wada, Pirna, Bardez | Rs.5.00Cr |
| 10. | Construction of Rural Medical Dispensary at Rivona under Primary Health Centre, Quepem | Rs.2.09 Cr |
| 11. | Construction of Government Primary School at Ambewada, Khandola | Rs.1.00 Cr |
| 12. | Office Complex, Bicholim | Rs.57.00 Cr |
| 13. | Government Complex at Morod, Mapusa, Goa | Rs.23.00 Cr |
| 14. | Construction of College block, Goa Medical College | Rs. 250.00 Cr |
| 15. | Construction of 15 bedded Urban PHC at Cuncolim | Rs. 18.00 Cr |
| 16. | Construction of Multipurpose Hall at Cuncolim | Rs. 12.00 Cr |
| 17. | Construction of Community Hall in Navelim, Bicholim Taluka | Rs. 2.00 Cr |
| | Total | Rs. 640.09 cr |

## SEWERAGE CORPORATION

राज्यांतल्या Sewerage वेवस्थापन आतां सावन Sewerage Corporation पळयतले. Sewerage कडेन लक्ष दवरपाखातीर Sewerage Corporation हें एकमेव Authority आसतली जें सगळ्या प्रकारच्या Sewerage कामांखातीर आनी देखरेखीक जापसालदार आसतलें. O&M सयत गोंय राज्यांत नवे प्रकल्प, नेटवर्क स्थापन करपाचें काम Sewerage म्हामंडळाक सोंपतले. सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान ह्या वर्सा टोंका हांगा 27.5 एमएलडी आनी 1.5 एमएलडी सांडपाणी

उपचार प्रकल्पां खातीर Tertiary Treatment सुविधा दिवपाचो प्रस्ताव मांडला. हाका 53.12 कोटी रुपया  खर्च येतलो.

सभापती महाशय, फुडल्या 25 वरसांच्या मलनि:सारण गरजांची पूर्तता करपाक म्हजे सरकार Goa Sewerage Master Plan 2050 चालिक लायतलें. पुराय राज्यांतलो sewerage network  विशेष करून किनारी भागांनी आसपी sewerage network व्यवस्थित चालिक लावन न्हयांचे उदक दूषित जावचे ना हाचीय आमी जतनाय घेतले. भारताची पयली Vacuum Sewer Network System पणजे सुरू जाल्या हें हया  हाऊसांत सांगपाक म्हाका खोस जाता.

सभापती महोदय, कांय वाठारांनी Sewerage चें जाळें घाल्लें आसून लेगीत लोक हया जोडणींचो लाव घेवपाक आडखळटा, ताका लागून दूषितताय येता. मलनी:सारण कार्यक्षम रितीन करप आनी पर्यावरण प्रदुशणाचेर आळाबंदा हाडप हो sewerage लायनी घालपाचो हेतू आशिल्लो. Sewerage  नेटवर्क जोडणी वाडोवपाचो उपाय म्हण जे लोक sewerage  जोडणे खातीर पात्र आसात पूण फायदो घेनात अशा रहिवाशांक निवासी जोडणी खातीर तांच्या उदका शुल्काच्या अतिरिक्त 50% आनी वेपारी जोडणी खातीर तांच्या शुल्काच्या अतिरिक्त 100% बिल आकारतले. Sewerage जोडणी घेतल्या उपरांतूच शुल्क परतून सामान्य करतले.

हया वर्सा दोन नवे प्रकल्प सुरू जातले:

| Sr. No. | Constituency | Name of Project / Scheme | Estimated cost in Cr |
|---|---|---|---|
| 1 | Sanquelim | Sewerage Scehme for Sanquelim - Phase II | 110.00 |
| 2 | Porvorim | Sewerage Scheme for Porvorim - Phase II | 100.00 |

सभापती महोदय, 2025-26 हया अर्थिक वर्सा सकयल दिल्ल्यो Sewerage येवजणो पुराय जातल्यो:

| Sr. No. | Constituency | Name of Project / Scheme | Estimated cost in Cr |
|---|---|---|---|
| 1 | Margao | Sewerage Scheme for Margao | 25.00 |
| 2 | Navelim | Sewerage Scheme for Navelim | 35.00 |
| 3 | Benaulim | Sewerage Scheme for Colva | 45.00 |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 4 | Ponda and Madkai | Sewerage Scheme for Ponda And surrounding areas | 45.00 |
| 5 | Porvorim | Sewerage Scheme for Porvorim - Phase I | 75.00 |
| 6 | Curchorem | Sewerage Scheme for Curchorem Phase I | 15.00 |
| 7 | Taleigao | Sewerage Scheme for Taleigao | 10.00 |
| 8 | Vasco | Sewerage Scheme for Uddir Orulem Mestawada | 14.00 |
| | | Total | 264.00 |

ह्या चालू Sewerageचें काम पुराय जातकूच गोंयांत मलनि:सारण कव्हरेज 30 टक्क्यांनी वाडटली.

सभापती महाशय, कुडचडें आनी भोंवतणच्या वाठारांनी प्रदुशण उणें करपाचें आनी जुवारी न्हंयचें संवर्धन करपाचें काम (phase II) केंद्र सरकाराच्या पालवान अंदाजे 25 कोटी रुपया खर्चून हातांत घेतले. तशेंच जल शक्ति मंत्रालयान मंजुरी दिल्या उपरांत ह्याच प्रकल्पाचो तिसरो टप्पो 300 कोटी रुपया खर्चून सुरू करतले.

## PUBLIC WORKS DEPARTMENT

सभापती महोदय, भौशीक बांदकाम खात्याक 1,975.65 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. तातूंतले 744.85 कोटी Revenue Expenditure खातीर आनी 1,230.79 कोटी रुपया Capital Expenditure खातीर आसात.

सभापती महोदय, भौशीक बांदकाम खातें, वीज, उदका संसाधन आनी गोंय सरकारचीं हेर खातीं/म्हामंडळां हांणी empanel केल्ल्या कंत्राटदारांनी सुरू केल्लीं मुळावी बांदावळ कामां वेगान करपाच्या हेतान, हांव 'मुख्यमंत्री अर्थ सहाय येवजणेचो प्रस्ताव मांडटां. हे येवजणेखाला गोंय सरकारान जारी केल्ल्या कामांचेर empanelled कंत्राटदारांक easy, hassle free and low interest credit मेळटलें.

सभापती महोदय,ह्या पवित्र सभाघराक कळोवंक सोदतां की आमचे माननीय प्रधानमंत्री आनी माननीय केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री, हांच्या फुडारपणा खाला आनी मार्गदर्शना खाला 'डबल इंजिन सरकार' चो परिणाम म्हण  गोंयाक फाटल्या १० वर्सांक वेगवेगळ्या राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पां खातीर अंदाजे 30,000 कोटी रूपया मंजूर जाल्यात.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकाराच्या सक्रिय यत्नांक लागून, ग्रामीण विकास मंत्रालयान प्रधानमंत्री ग्राम सडक विकास येवजणेखाला 62.62 k.m च्या ग्रामीण रस्त्यांच्या जोडणे खातीर 102.05 कोटी रुपयांची मंजुरी दिल्या. प्रकल्पाचो तपशील 'Annexure -B' प्रमाण आनी अर्थिक वर्स 2025-26 त हे प्रकल्प पुराय जावपाची अपेक्षा आसा.

ANNEXURE B - Roads under PM-Gram Sadak Yojana

| Sr. No. | Taluka | Project Name | Cost in Crores |
|---|---|---|---|
| 1 | Bicholim | MDR to Hathkhamba and Amona | 11.68 |
| 2 | Sattari | Savordem Bridge to Caranzol | 5.34 |
| 3 | Dharbandora | Udalshe to Deulmol, Metawada to Junction at Shigao, Bandol to Kamarkhand Village, | 16.01 |
| 4 | Ponda | Farmagudi to Ganganagar, Magilwada, Borim to Betoda Ponda Gram Panchayat, St. Marys to SH 7, Shiroda Market to G. E. High School Nirankal | 28.44 |
| 5 | Bicholim | Proposed RCC Bridge on Hathkhamba - Goa Road and RCC Bridge on Valvanti River | 40.58 |

सभापती महोदय, मडगांवच्या 332.55 कोटी रूपया खर्चून बांदिल्ल्या वेस्टर्न बायपासाक लागून मडगांव शारांत जावपी गाडयांचे गर्देचो विशय सुटावो जाला आनी 641.46 कोटी रुपया खर्चून पर्वरीत चालू आशिल्ल्या elevated corridor आनी हेर National Highway कामां बेगिनांत बेगीन पुराय करपाचे दिकेन चालू आसात. म्हज्या सरकारान सगळ्या मतदारसंघांनी Rs. 614.21 crores खर्चून सकयल दिल्ले Annexure - C प्रमाण प्रकल्प हातांत घेतल्यात.

सभापती महोदय, रस्त्याच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो दर्जो वाडोवपा खातीर तशेंच सुरक्षा आनी वेगवेगळ्या कारणांखातीर खणून काडिल्ले रस्ते पुर्नस्थापीत करपाखातीर 1,208.69 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, हाटमिक्सींग जाल्ल्या रस्त्यांचें आनी फुडलीं ५ वर्सां रस्ते खणपाक परवानगी दिवचे नात. परत परत रस्ते खणप टाळपा खातीर रस्त्याच्या सगळ्या कामांत रस्त्याच्या कुशीक उदका पुरवण, वीज पुरवण, ब्रॉडबँड, Sewerage

आदी सगळ्या सेवां खातीर Common Utility Duct आसपावीत करपाचे हांव जाहीर करता.

Speaker sir, a new policy on road engineering and design will be introduced to construct Green Corridors along major Highways which will stop access to stray cattle, improve aesthetics and ensure commuter safety on roads. The process of structural audit of various bridges and culverts in Goa has been undertaken by my Government and will be completed this year.

## BUILDINGS

Speaker Sir, conduct of Structural Audit of Government Buildings is already taken up. Based on the outcome of the detailed consultancy report, remedial measures for strengthening will be undertaken on a fast track mode. I also propose to take up Structural Audit of all heritage buildings in the State and thereafter restoration of all the heritage buildings as per need and assessment will be initiated. In order to improve the visual appeal of Government buildings, I propose to paint all the Government buildings in respective locations with a uniform colour code.

तशेंच इमारत क्षेत्राखातीर, नव्यो इमारती बांदप, देखरेख आनी सरकारी इमारतींची देखरेख आनी दुरुस्ती हे खातीर 273 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या. दक्षिण गोंय old जिल्होधिकारी आनी पुलीस मुख्यालय इमारतीचे दुरुस्तीचें काम अंदू सुरू जातलें. Vertical Gardens for addressing Urban Heat Islands in Urban Areas अशे वेगवेगळे Greening Initiatives सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

धोरणात्मक उपाय म्हणून Roads, Buildings, Water Supply आनी Sewerage प्रकल्प ह्या फुडारांत येवपी निविदांचेर 5 वर्सांखातीर inbuilt O&M clause आसतलो जो सराकाराखातीर फायदेशीर आनी बचत दिवपी आसतलो.

सभापती महोदय, 2025-26 ह्या अर्थिक वर्सा सामान्य लोकांक खंयचीय जोडणी, कागाळी आदी खातीर भौशीक बांदकाम खात्याच्या कार्यालयाक भेट दिवपाची गरज आसची ना आनी ही सगळी प्रक्रिया सद्याच्या 'One App for All Services' ह्या ऑनलायन डिजिटल मोडा वरवीं जातली.

## DRINKING WATER DEPARTMENT

सभापती महोदय, सगळ्या नागरीकांखातीर नितळ पिवपाचें उदक मेळचें तशेंच राज्यांतली उदकाची पुरवण आनीक घटमूट करपाखातीर ह्या अर्थिक वर्स सावन 'Drinking Water Department' हें नवें खातें कार्यरत जातलें. सगळ्यांखातीर

उदकाचें समान वांटप तशेंच सद्‌द्या चालू आशिल्ले उदक पुरवण प्रकल्प बेगिनांत बेगीन पुराय करप हो म्हज्या सरकाराचो मुखेल हेत आसा. ‘Drinking Water’ हें नवीन खातें सुरू करपाखातीर 801.48 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, **‘Drink from Tap’** हे येवजणेखाला म्हज्या सरकारान सगळ्या नगरपालिका वाठारांतल्या उदक पुरवण सुविधांची सुदारणा करपाचेर चड लक्ष केंद्रीत करपाची मोख दवरल्या. अंदूच्या वर्सा सावन, सगळे नवे उदकाचे मीटर गळती बंद करपा खातीर आनी बिलिंग कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर Smart Water Meter दिवपाचो प्रस्ताव आसा.

Speaker Sir, numerous water tankers operate for transportation of various types of water including raw water, potable water, sewerage water and STP-treated grey water. I propose to bring about a comprehensive control to regulate the water tanker sector through responsible mandatory registrations and color coding of all types of tankers.

Speaker sir, to cater to water requirements, my Government has undertaken construction of water treatment plants total amounting to Rs.1,023.35 crores across various constituencies as detailed below:-

| Sr no | Constituency | Name of Work | Cost (Cr) | Likely date of completion |
|---|---|---|---|---|
| 1. | Valpoi, Priol, Sankhalim, Sanvordem | 25 MLD WTP at Ganjem | 119.94 | Dec 2025 |
| 2. | Mandrem | 30 MLD WTP at Tuem | 88.60 | Dec 2025 |
| 3. | Siolim | 5.6 MLD pressure filter plant at Siolim | 14.04 | May 2025 |
| 4. | Mapusa, Siolim, Aldona, Saligao Calangute Tivim and Porvorim | Augmentation of Assonora WTP by 30 MLD | 13.91 | June 2025 |
| 5. | South Goa District | 100 MLD WTP at Salaulim | 495.30 | Nov 2025 |
| 6. | Sanvordem | 3 MLD WTP at Collem - Dharbandora | 31.62 | April 2025 |
| 7. | Poriem | 15 MLD WTP at Morlem | 90.64 | Mar 2026 |
| 8. | Bicholim | 10 MLD WTP at Menkurem | 81.57 | May 2026 |
| 9. | Saligao | 15 MLD WTP at Pilerne (tendered) | 41.74 | May 2026 |
| 10. | Mormugao | 10 MLD pressure filter at Cuelim (tendered) | 7.91 | May 2026 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 11. | Canacona | 5 MLD WTP at Gavnem Gaondongrim ( to be tendered) | 38.08 | Dec 2026 |
| | | TOTAL | 1023.35 | |

Speaker sir, I also propose to carry out water supply works as mentioned in Annexure D amounting to Rs 577.01 crores.

## WATER RESOURCES

सभापती महोदय, जलस्रोत खात्याक 759.99 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या, तातूंतले 491.54 कोटी रुपया Capital Expenditure खातीर आसात. गांवगिऱ्या वाठारांनी पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर भितरल्या वाठारांतले जलाशय आनी उदका स्त्रोत सांबाळून आमी विकसीत करतले.

सभापती महोदय, म्हादईचो प्रस्न सर्वोच्च न्यायालयांत आसा आनी आमी म्हादेईची राखण करपा खातीर आमचे सगळे यत्न बऱ्यांतल्या बऱ्या पद्दतीन करत आसा. गोंयांत PRAWAH स्थापन जावप हे आमचेखातीर फायदेशीर गजाल आसा.

सभापती महोदय, बार्देज म्हालांतल्यो उदकाच्यो गरजो पुराय करपाखातीर, आमठाणे धरणांतल्यान विशेश Raw Water पुरवण करपी एक pipe line घालून, एक अद्वितीय उपक्रमाची कल्पना राबयल्या. तशेंच, साळ ह्या गांवांत शापोरा न्हंयचेर barrage आनी 250 MLD Raw water pumping station बांदून, म्हज्या सरकारान तिळारी कालवो बंद आसल्यार लेगीत उत्तर गोंयाक अखंड उदका पुरवण सुनिश्चीत करपाखातीर 75 lakh cubic meter उदक साठोवन दवरपाची येवजण आंखल्या.

राज्यांतली उदकाची पुरवण सुदारपाखातीर 691.60 कोटी रूपयांचे सकयल Annexure-E हातूंत दिल्ले प्रकल्प सद्द्या हातांत घेतल्या.

Annexure - E: List of ongoing works of WRD Department

| Sl No | Work | Cost (in Rs. crores) |
|---|---|---|
| 1 | Strengthening and lining of Tillari Irrigation Project. | |
| | a. Left bank main Canal. | 70.30 |
| | b. Right bank main Canal. | 36.38 |
| | c. Sakanali distributary canal | 27.63 |

| | | |
|---|---|---|
| 2 | Laying of 1000 MM DI pipe line for 100 % dependable RAW water supply to Bardez from Amthane -Sal pumping system to the extent of 150 MLD | 146.85 |
| 3 | Construction of Barrage and 250 MLD Raw water pumping station on Chapora river at Village Sal/Dhumase | 350.00 |
| 4 | Const of 15 MLD Raw water supply to Sal, Dhumase and Latambarcem industrial estate | 20.00 |
| 5 | Const of 15 MLD Raw water supply to Morlem sattari | 20.00 |
| 6 | Const of 20 MLD Raw water supply to Pillarne , Calangute Bardez | 20.00 |
| | Total | 691.16 |

सभापती महोदय, हांव 'Piped Automated Irrigation System' चालीक लावपाचो प्रस्ताव मांडटां. अश्या तरेचो प्रकल्प DMF तर्फे आमी सांखळी मतदारसंघातल्या सुर्ला गावांत चालीक लावन 45 hectares जमीन लागवडीखाला हाडपाक यशस्वी जाल्यात. वेगवेगळ्या गांवांतल्या शेतकारांक शिंपणावळ केल्ल्या उदकाचो प्रवाह परतून वापरपाक मेळचो, कालव्याची वाड आनी सूक्ष्म / नळांतल्यान irrigation करून उदकाचो अर्थीक वापर वाडोवप हाचेखातीर हो उपक्रम आसा.

सभापती महाशय, बेकायदेशीर borewell मारपी लोकांचेर दंडात्मक कारवाय जातली हाची ह्या सभाघराच्या माध्यमातल्यान गोयच्या जनतेक गवाय दितां.

सभापती सर, राज्यांत उदका पुरवण जाळें वाडोवपाच्या हेतान, शिंपणावळ, उद्देगीक आनी पिवपाखातीर सुमार 15 TMC उदक सांठोवपाच्या हेतान 6 नव्या धरणाच्या बांदकामा खातीर Pre-Feasibility study करपाचें म्हज्या सरकारान थारायलां.

Speaker Sir, for action plan on flood control measures, राज्यांतल्या सगळ्या मुखेल न्हंयांच्या हुंवाराचो अदमास आनी हुंवाराच्या वाठाराचे नकाशे तयार करपाखातीर National Institute of Hydrologyच्या पालवान म्हज्या सरकारान अभ्यास सुरू केला.

सभापती महोदय, feasibility study च्या अदमासा प्रमाण 1,000 कोटी रुपया परस चड खर्च येवपी सकयल दिल्ले नवे प्रकल्प ह्या वर्सासावन हातांत घेवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटा. तशेंच 2047 मेरेन गरज भागोवपा खातीर सगळ्या तालुक्यांक Raw Waterची फावो ती पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर राष्ट्रीय एजन्सी/संस्था वरवीं अभ्यास करतले.

| Sr No. | Name of the project | Area/Location |
|---|---|---|
| 1 | 30 MLD Raw water supply to the IDC | Kundai and Madkai |
| 2 | 30 MLD Raw water supply by augmenting the Bondwal lake from TIP canal | Panaji and surrounding areas |
| 3 | Construction of Bandhara and lift Irig scheme | Shiroda and Ponda |
| 4 | Construction of Bandhara Across Mhadei river at Sonal and Ustem | Sattari |
| 5 | New 20 MW hydro power station at Salauli Dam. | Sanguem |
| 6 | Flood Control measures | Bicholim, Sankhali, Shiroda and Ponda |
| 7 | Lake Improvement Project | Bardez, Quepem and Salcete |

## ELECTRICITY

सभापती महोदय, वीज खात्याक रू. 4,131.15 कोटींची तरतूद आसा.

सभापती महाशय, गोंय राज्याक नियमित वीज मेळची म्हण Rs. 1,000 crore खर्चून चालीक लायिल्लो 'Goa Tamnar' प्रकल्प ह्या वर्सा लोकार्पित जातलो. Coastal पट्ट्यांनी वीज पुरवण घटमूट करतले, जाका लागून अखंड वीज पुरवण सुनिश्चीत जातली आनी तशेंच आस्थापना डिझेल जनरेटरां बदला clean energy कडेन वळुंक शकतलीं.

सभापती महोदय, ह्या वर्सा सावन जारी केल्ले सगळे नवे वीज मीटर Smart Meters दिवपाचे यत्न करतले. Annexure - F त उल्लेख केल्ले सकयल दिल्ले प्रकल्प जांचो अदमास खर्च 239.77 कोटी रुपया आसात, तांचें काम ह्या वर्सा हातांत घेतले.

Annexure - F : List of Electricity Works total amounting to Rs 239.77Cr to be taken up this year

| Sr No. | Constituency | Name of Work/Project | Amount (Rs.Crores) |
|---|---|---|---|
| 1 | Ponda | Commissioning of new Power Transformer in Ponda Sub-Station. | 13.64 |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 2 | Ponda | Indoor Digital Control & Protection Panels & Outdoor Metering Unit Panels, Power Transformer Bays at Ponda Sub-Station. | 20.73 |
| 3 | Benaulim | Bifurcation of existing Betalbatim & Colva Express Underground Feeders to provide reliable and uninterrupted power supply along coastal belts in Benaulim Constituency | 18.08 |
| 4 | Sanguem | Underground cabling network of Sanguem feeder | 16.68 |
| 5 | Vasco | Converting and bifurcating of overhead Mangor feeder into two Underground feeders namely Varnapuri and Mangor | 24.94 |
| 6 | Siolim | Conversion of part of overhead Tembi feeder to underground cable system | 11.84 |
| 7 | Velim | Conversion of HT network to underground HT network in Chinchinim, Dramapur and Sarzora area of Velim Constituency | 51.10 |
| 8 | Sanvordem | Conversion of 33KV Overhead Lines to Underground Network Ponda Sanvordem feeder and interlinking to Dharbandora Sub-Station and conversion of overhead lines to Underground Network of Dabal feeder in order to provide uninterrupted power supply to the consumers | 52.65 |
| 9 | Poriem | Conversion of old overhead cable of Honda feeder along with Honda IDC and Pissurlem IDC | 30.11 |
| | | Total | 239.77 |

सभापती महोदय, वयर दिल्ल्या कामां सयत, पुराय राज्यांत वेगवेगळे जाग्यार 300 कोटी रुपयांपरस चड किंमतीच्यो एलटी आणि एचटी लायनी Underground घालतले.

सभापती महोदय, ERP implementation, replacement of old Distribution Transformer Centres, reconductoring of overhead conductors, LT Underground Cabling works etc. हीं कामां केंद्र सरकाराच्या मजतीन सुदारीत वितरण क्षेत्र येवजणे खाला हातांत घेतले आनी तेखातीर 338 कोटी रूपयांचो खर्च येतलो.

सभापती महोदय, Annexure - G त उल्लेख केल्ले प्रकल्प जांचो अदमास खर्च 1,060.60 कोटी रुपया आसात, तांचें काम ह्या वर्सा पुराय झातले.

**NEW AND RENEWABLE ENERGY**

सभापती महाशय, New and Renewable Energy खातीर आर्थिक तरतूद 62.15 कोटी रुपया इतली आसा. राज्याच्या दर्यादेगेवेल्या पट्ट्यांनी CNG,Biofuels and other such renewable sourcesचो वापर करपाक प्रोत्साहन दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, केंद्र सरकार आणि District Mineral Foundation हांच्या सहकार्यान 60 कोटी रुपया खर्चून प्रायोगिक तत्वाचेर 'Model Solar village' प्रकल्पाच्या माध्यमातल्यान एका गांवाक लागपी वीज पुराय तरेन सौर ऊर्जेचेर तयार जावपाक शकता हे सिद्ध करपाची आमची मोख आसा. Goa Engineering College हांगासर 5 MW-Ground mounted and roof mounted Solar power plant कार्यान्वित करपाचेय आमी थारायलां. भलायकी खात्याच्या अधिपत्याखाला येवपी दोन भलायकी केंद्रां आनी एक प्राथमीक भलायकी केंद्रांत, भारत सरकाराच्या आदारान सौर ऊर्जा सेवा चालीक लायतले.

सभापती महाशय, हाच्या व्यतिरिक्त सगळ्या महत्वाच्या जेटींचेर सौर ऊर्जेचो वापर जावचो, Electricity Departmentच्या सगळ्या substations चेर 13.6 MW ground mounted Solar PV plant कार्यान्वित करचो आणि केंद्र सरकारच्या मदतीन राज्यांत 700 solar water pumps कार्यान्वित करचे असो आमचो हावेस आसा.

सभापती महाशय, 'Subsidy for purchase of EVs' येवजणे अंतर्गत 14.50 कोटी रुपया तरतूद करून राज्यांत Electric Vehicles वापरपाक प्रोत्साहन दिवपाचे आमी थारायलां. भौशिक थळांचेर चडांत चड Charging Stations निर्माण जावची म्हण source to the charging station अशी high-tension वीज जोडणी करपाक लागपी खर्चाचेर 50% subsidy दिवपाचेय आमी निश्चित केलां.

## URBAN DEVELOPMENT

सभापती महोदय, नगरपालिका प्रशासन खात्याक रु. 452.68 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

सभापती महोदय, सगळ्या नगरपालिकांनी दिसपट्ट्या पगाराचेर काम करपी कामगार जांणी 7 वर्सां वा चड काळाखातीर काम केलां अशा कामगारांक तांच्या कामाची पावती म्हूण 'Temporary Status' दिवन तांच्या कामाक फावो असो मोबदलो दिवपाचें हांव जाहीर करता.

सभापती महोदय, City Investments to innovate, Integrate and sustain 2.0 म्हळ्यार CITIIS 2.0 ही येवजण पणजेखातीर मान्य जाल्या, जाका लागून पणजी शाराक रू. 135 कोटींची मजत मेळटली. चार वर्सां खातीर ही येवजण चलतली आनी तातूंत saturation in solid waste management operations and Centre for Circularity and Climate हांचो आस्वाप आसतलो. Altinho हांगा

sewerage लायनी सुदारून आनी Kadamba Plateauचेर नवी लायन घालून पणजेंतलें Sewerage network घटमूट करतले.

सभापती महोदय, वर्सुकी 12.19 कोटी लिटर उदकाची बचत करपा खातीर पणजी शारांत नवे 6,000  Smart Water Meters बसयतले. पणजेचे तीन मुखेल रस्ते, 18 जून रस्तो, आत्मराम बोरकर रस्तो आनी पांडुरंग पिस्सुर्लेकर रस्तो हातूंतल्यान storm water drains चे upgradation आनी ह्या रस्त्यांचो स्मार्ट रस्ते म्हणून  विकसीत करपाक दोन अर्थीक वर्सांच्या काळांत तांकां कंक्रीट करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, तशेंच सद्याच्या 1,916 nos. Smart pole and Smart illumination luminaries 3,500 पर्यंत वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जाका लागून 1.90 कोटीं रुपया मेरेन खर्चाची बचत जातली. तशेंच Smart City Mission  खाला तयार केल्ल्या assets हांचे monetization करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, slum redevelopment उपक्रमाखातीर 5 कोटींची तजवीज केल्या. मडगांव पालिका मंडळाच्या Heritage इमारतींचे दुरुस्तीचें काम ह्या वर्सासावन हातांत घेतले. भारत सरकाराच्या आदारान Mopa Airport Development Authority  (MADA) खाला the “New Mopa City” चें नियोजन करतले. तशेंच ग्लोबल स्टँडर्ड आशिल्ल्या शारांसारखी उदरगत करपा खातीर खाशेले रंग कोड आशिल्ले गोंयांतली वेगवेगळीं शारां विकसीत करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय Integrated Development of Major Towns (IDMT) येवजणे खाला 55 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.  येवजणे खातीर दिल्लो निधी ह्या वर्सा सावन दरेका पालिकेक सारको वांटून दितले.

सभापती महोदय, Amrut 2.0 खाला सकयल दिल्ले प्रकल्प ह्या वर्सासावन सुरू जातले.

| | | |
|---|---|---|
| Curchorem | Water Source augmentation and improvement of distribution line of Curchorem town including O & M of 5 years | Rs. 22.57 crores |
| Valpoi | Improvement and upgradation of 15 MLD WTP at Dabose in Valpoi municipal area including O & M of 5 years | Rs. 22.89 crores |
| Mapusa | Augmentation and improvement of water distribution system in Mapusa municipal area. including O & M of 5 years | Rs. 51.49 crores |
| | Total | Rs 96.95cr |

सभापती महोदय, Smart City Mission खाला Annexure-H प्रमाण दिल्ले प्रकल्प ह्या वर्सासावन सुरू जातले.

Annexure-H : List of Works under Smart Cities Mission

| Sr. No. | Project Name | Cost in Rs. crores |
|---|---|---|
| 1 | Development of Pedestrian Spine and Revitalization of Patto Area - Soft landscaping works | 1.54 |
| 2 | Beautification and Pedestrianization of Cafe Bhonsle Square in Panaji Goa | 4.45 |
| 3 | Development of Ribandar Community Market under Smart Cities Mission | 7.73 |
| 4 | Development of Universal Walkways in Panaji with Operation and Maintenance of Selected Facilities under Smart Cities Mission | 80.44 |
| 5 | Redevelopment of Fishermen's Wharf at Ribandar | 2.6 |
| 6 | Development of Pedestrian Spine and Revitalization of Patto Area | 21.5 |
| 7 | Improvements of roads including up-gradation, augmentation, footpath, cycle track, dedicated utility corridor and laying of new utilities like electrical, water supply, sewage, OFC etc. on Engineering, Procurement Construction (EPC) | 129.81 |
| 8 | Development of Smart Ribandar with Operation and Maintenance of Selected Facilities under Smart Cities Mission | 82.26 |
| 9 | Providing Smart Street Lighting along roads taken up under Smart Cites Mission in CCP, Panaji | 6.4 |
| 10 | 24X7 Water Supply with SCADA for Panaji City | 58.11 |
| 11 | Restoration, Refurbishment Interior Design of Off. Premises of Imagine Panaji Smart City Dev. Ltd. | 27.58 |
| 12 | Development of Pedestrian Spine and Revitalization of Patto Area- Designing, supplying and installation of Climbing Wall and Indoor Amusement works | 1.19 |
| | Total | Rs 423.61cr |

## TOURISM

सभापती महोदय, पर्यटन खात्याक 440.98 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

Speaker sir, दर्जेदार पर्यटक आकर्शीत करपाच्या हेतान Sustainable Tourism हाका चालना दिवपाचो आनी तशेंच पर्यटक आनी थळावे लोक राज्यांत शांततायेन एकठांय रावपाची खात्री करपाचो म्हजो हेतू आसा.

राज्याची मुळावी पर्यटन बांदावळ घटमूट करप आनी देश तशेंच आंतरराश्ट्रीय पर्यटकांखातीर एक मुखेल ठिकाण म्हूण राज्याचें स्थान बळकट करपाखातीर हांव व्हड आभिमानान एक व्यापक अर्थसंकल्प सादर करता. राज्या खातीर येणावळ निर्माण करपी tourism हो एक म्हत्वाचो घटक आसा. हॉस्पिटॅलिटी क्षेत्र, पर्यटन संबंदीत वसूली आनी पर्यटन संबंदीत वेवसायांक लागून निर्माण जावपी अर्थीक कार्यावळी राज्याचे तिजोरेंत मोठे योगदान दिता. ह्या यत्नांत आमी गुंतवणूक आनी विस्तार करतना आमकां आत्मविस्वास आसा की ह्या म्हत्वाच्या क्षेत्रांत आनीक वाड जावपाची शक्यताय आसा.

पर्यटन मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर केंद्र सरकाराच्या आदारान फुडले प्रकल्प प्राधान्याचेर चालीक लावपाचो हांव प्रस्ताव मांडटा:

1. Wayside Amenities: थळाव्या लोकांक अर्थक संदी निर्माण करपाच्या हेतान आधुनीक वॉशरूम, को-वर्किंग स्पेस आनी कॅफे सारक्यो सुविधां पर्यटकांखातीर उपलब्ध करप.

2. ऑनलायन टॅक्सी – प्रवाशांचे सोयीखातीर App Aggregator चेर तांची नोंदणी करून गोंयची टॅक्सी सेवा डिजिटल प्लॅटफॉर्माचेर एकठांय हाडप.

3. “Plug & Play” Model - संगीत मैफिली आनी व्हड मेळाव्यांखातीर एक मुखेल ठिकाण म्हूण विकसित करपाखातीर एका अत्याधुनिक सुविधाची कल्पना येवजिल्या.

4. Enhance Cruise Tourism - गोंयांत येवपी अत्याधुनीक क्रूझ टर्मिनल पर्यटनाच्या मळार परिवर्तन घडोवन हाडपाखातीर सज्ज आसा, जें क्रूझ पर्यटनाक मोठी चालना दिवपा बरोबरूच, नोकऱ्यो तयार करतलें आनी अर्थिक वाड करतलें.

5. New Jetty Terminal and Mini Convention Center at Panaji: 1 जून, 2025 मेरेन New Jetty Terminal सुरू जातलें आनी Mini Convention Centerचे काम डिसेंबर, 2026 मेरेन पुराय जातलें.

6. Aero-tourism - Quitla हांगा नवो एरो-टूरिझम उपक्रम प्रस्तावीत केला, जातूंत स्कायडायविंग आनी ड्रोन सारकिल्या साहसी कार्यावळींचो आस्पाव जाता. तशेंच स्कायडायव्हिंग आनी ड्रोन पार्क, हवाई क्रीडा,

मोटारयुक्त paragliding, Hot Air Ballooning, आनी Aerobatic flights ह्या सारक्या साहसी कार्यावळींचो आसवाप आसा.

7. Oceanarium - Underwater tunnels आनी Immersive Marine प्रदर्शनांनी युक्त असो एक प्रस्तावीत लँडमार्क डोम गोंयच्या गिरेस्त सागरी वारशाचें प्रदर्शन घडयतले.

8. Developing Caravan Parks - पर्यटनाक चालना दिवपाखातीर आनी "Goa Beyond Beaches" प्रदर्शित करपाखातीर केरी आनी गोंयांतल्या हेर सुवात्यांचेर कॅराव्हॅन पार्कांचो विकास चालू आसा.

9. Porvorim Town Square - पर्वरी हांगा जावपी टाउन स्क्वेर एक गतिशील सार्वजनिक जागा आसतली जातूंत प्लाझा, थीम कोर्ट, आनी market place वाठार आसतालें.

10. Chhatrapati Shivaji Maharaj Digital Museum – फोंडा हांगा विद्यमान छत्रपती शिवाजी महाराज किल्ल्यांत नियोजीत छत्रपती शिवाजी महाराज डिजिटल संग्रहालय हें एक अंत्याधुनिक अणभव केंद्र जातलें. म्हान मराठा योद्ध्याक ती एक योग्य श्रध्दांजली आसतली. तांचो दृश्टीकोण, फुडारपण आनी गोंयच्या इतिहासा कडेन आशिल्लो संबंद हाचोय प्रत्यय हांगा येतलो.

11. Digital Nomads - Digital Nomads हांकां आकर्शीत करपा खातीर आनी गोंयची थापणूक एक अग्रगण्य "workation" डेस्टिनेशन म्हूण स्थापित करपाखातीर, Coworking High Speed Internet आनी आयटी सारक्यो सेवा हातूंत गुंतवणूक करून एक क्लस्टर तयार करतले.

सभापती महोदय, बायलांची सुरक्षा सुनिश्चीत करपाच्या हेतान आनी बायल एकटी प्रवास करतना तिका सुरक्षित दिसचें म्हूण पिंक फोर्स, वाडीव देखरेख आनी दर्यादेगेवेली सुरक्षा घटमूट करप अशे वेगवेगळे उपक्रम हातांत घेतले.

सभापती महोदय, जबाबदार पर्यटनाचे पुरस्कर्ते म्हूण गोंयकारांक गरजेच्या वस्तूंनी सज्ज करप, विकसीत जावपी पर्यटन उद्देगा खातीर skills सशक्त करप ह्या हेतान राज्य पातळेचेर एक tourism ambassador कार्यावळ सुरू जातली.

सभापती महोदय, गोवा बियॉन्ड बीचेस हाचो प्रचार करपाखातीर, म्हज्या सरकारान गोंयांत होमस्टे, B&B आनी Caravan गुंतवणुकीखातीर अर्थिक प्रोत्साहन दिवपाक एक येवजण सुरू केल्या.

आध्यात्मिक पर्यटनाचो प्रसार करपाचो एक भाग म्हूण नार्वे हांगा बोटी वांगडाच पर्यटन, घाट आनी बसपाची सुवात विकसीत करतले. तशेंच बोटींतल्यान

प्रवास करून गंगा आरती थळ म्हूण तांचें आकर्शण वाडयतले. राज्यांतल्या 11 मुखेल देवळांक जोडपी आनी गिरेस्त संस्कृताय आनी इतिहासीक म्हत्व आशिल्ल्या 'एकादश तीर्थाची' उदरगत जातली. पर्यटना खातीर तालुका-wise सर्किटूय अशेच तरेन तयार करतले.

सभापती महोदय, गोंयांत 'युनिटी मॉल' चें बांदकाम केंद्र सरकाराच्या पालवान ह्या वर्सासावन सुरू जातलें. देशांतल्या Sustainable and Responsible Tourism थळांच्या उदरगतीखातीर सुरू केल्ल्या 'स्वदेश दर्शन २.०' येवजणेखाला पर्वरी आनी कोलवा ह्या दोन वाठारांचो उदरगतीखातीर आसपाव जाला.

सभापती महोदय, Annexure I प्रमाण ह्या अर्थिक वर्सा 225.42 कोटी रूपयांचें प्रकल्प ह्या वर्सा चालिक लायतले.

Annexure I

| Sr. No. | Name of the work | Cost (in Rs. crores) |
|---|---|---|
| 1 | Construction of Gateway to Goan Cultural Experience Zone- The Iconic Town square at Porvorim under Special assistance to States for capital investment scheme | 90.74 |
| 2 | Swadesh Darshan 2.0- Porvorim creek experience and Colva Beach Experience | 39.20 |
| 3 | Construction of Goa HAAT at Panaji | 34.24 |
| 4 | Development and beautification of PDA Garden at Porvorim (Balance work) | 2.81 |
| 5 | Development of Tourism Infrastructure and wayside amenities from IHM to Art Park | 5.10 |
| 6 | Beautification and providing Basic Amenities at Siridao Beach Promenande in Siridao Village of Tiswadi Taluka. | 2.26 |
| 7 | Development and Beautification of Mauli Temple and Ravalnath Temple at Torxem and Mauli Temple at Ugavem in Pernem Taluka, Goa | 3.38 |
| 8 | Beautification and Providing basic amenities at Morjim Beach Promenade in Morjim Village of Pernem Taluka. | 8.93 |
| 9 | Providing Entrance Arch at Beaches in North and South Goa. | 5.46 |

| | | |
|---|---|---|
| 10 | Upgradation/ Beautification of shree Mauli Temple Menkurem, Bicholim Taluka Goa | 2.50 |
| 11 | Beautification around Lake and surrounding area near Shree Mahaganapati Temple at Madel Village. | 2.65 |
| 12 | Beautification and Development of Shantadurga Bhumipurush Saptakoteshwar Temple Complex Fatorpa | 4.86 |
| 13 | Upgradation/ Beautification and Illumination of Shree Devi Shantadurga Alias Sateri Devasthan, Deulmol, Bolkarnem, Sancordem, Dharbandora-Goa. | 1.08 |
| 14 | Beautification & Illumination Surrounding Shree Dattaseva Pratishthan at Dayanandnagar, Piliem Dharbandoura- Goa. | 1.41 |
| 15 | Beautification and Illumination of Palolem Beach at Nagorcem Palolem Village of Canacona Taluka | 0.80 |
| 16 | Development and Beautification of Shri. Rudreshwar Temple, Harvalem and Harvalem Waterfalls | 20.00 |
| | TOTAL | 225.42 |

सभापती महोदय, दिवचले म्हालांतल्या मयां गांवाक CSS खाला पर्यावरण-पर्यटन आनी अमृत दरोहर थळ हे श्रेणींत वेंचून काडला. पर्यटनाच्या दृष्टिकोणांतल्यान ह्या गांवाची समग्र उदरगत साध्य करपाक रुपया 10 कोटी मंजूर जाल्यात.

Speaker Sir, for all tourism related infrastructure my government will provide all the infrastructure support such as electricity, water and sewerage connections through a single window mechanism.

Speaker sir, in order to promote the tourism infrastructure in Hotel and Medical Tourism Sector in the state, I propose to provide a tax holiday in form of 50% rebate on State GST, exemption in Stamp duty and Registration, waiver in other processing charges to investors who set up atleast three star category or above hotel or hospital in the hinterland talukas of Bicholim, Sanguem, Canacona, Quepem, Dharbandora, Ponda and Sattari.

## PUBLIC PRIVATE PARTNERSHIP

सभापती महाशय, Department of PPP खातीर आमी Rs. 7.50 crore तरतूद केल्या.

सभापती महाशय, Convention Centre at Dona Paula आणि Sanjivani Sugar Factory redevelopment ही दोनुय कामां ह्या वर्सा चालीक लागतलीं.

भारत सरकारच्या NBCC ह्या कंपनीकडेन MOU करून म्हजे सरकार महत्वाच्या जाग्यार आसपी व्हड क्षेत्रफळाच्या सरकारी जमिनींचे Redevelopment करपाचोय हावेस दवरून आसा. Redevelopment of Junta House, Government Garage Panaji, Vasco Bus Stand, Prashashan Stambh, Panaji Circuit house अशा प्रकारचे म्हत्वाचे प्रकल्प सरकारा कडल्यान कसलोच अर्थसंकल्पीय आदार नासतना हातांत घेतले.

## TRANSPORT SECTOR

## TRANSPORT

सभापती महोदय, येरादारी खात्याक रु. 339.79 कोटींची तरतूद आसा.

सभापती महोदय, 'म्हजी बस' येवजणेचो कव्हरेज चड मार्गांक आस्पाव करपा खातीर वाडयतले. हे येवजणे खातीर रू. 8 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

हांव 'मुख्यमंत्री बस सहायता येवजण 2024' हाचो प्रस्ताव मांडटां. खाजगी स्तरावेल्या गाडयांक पोरन्यो बशी बदलपाखातीर अनुदानाच्या रुपांत अर्थीक आदार दिवपा खातीर ही येवजण चालीक लावपाचो प्रस्ताव आसा जाका लागून रू. 10 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. तशेंच KTC buses पर्यावरणाक अनुकूल करपा खातीर डिझेलाचेर चलपी बशी टप्प्या टप्प्यान CNGचेर स्थलांतरीत करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, 'मुख्यमंत्री टॅक्सी सहाय येवजण' सुरू करपाचोय हांव प्रस्ताव मांडटा. गोंय राज्यांत App स्तराचेर चलपी पर्यटन टॅक्सी बदलपा खातीर ही अनुदान येवजण आसा. हे येवजणे अंतर्गत पर्यटन टॅक्सी बदलप आनी पर्यटन टँक्सीचो विमो हाचेखातीर अनुदान दितले.  हे येवजणेखातीर अर्थसंकल्पीय वाटप रू. 10 कोटी रुपया केल्यात.

सभापती महोदय, येत्या अर्थीक वर्सा सावन Transport खात्याचें मुखेल कार्यालय पर्वरी हाउसिंग बोर्ड संकुलांतल्या नव्या  कार्यालयात कार्यरत जातलें.

तशेंच डिचोली हांगसरल्या केटीसी बस स्टँडाच्या पुनर्विकासाचें काम अर्थिक वर्स 2025-26 त पुराय जातलें, जाका लागून 6.70 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, ह्या सभाघराक कळोवंक म्हाका खोस जाता की म्हज्या सरकारान चार बस टर्मिनलांची उदरगत करपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. ही उदरगत PPP मोडा वरवीं जातली जाचे खातीर वेव्हार सल्लागारांची नेमणूक झाल्ली आसा. हाचो पयलो टप्पो म्हण मडगांव आणि वास्को हांगाच्या Bus Stands चे काम जातलें.

## PORTS ADMINISTRATION

सभापती महोदय, Ports Department हांका रू. 49.41 कोटी दिल्यात.

सभापती महोदय, integrated port-led development संकल्पना सिद्ध करपाच्या हेतान Last Mile रेल्वे/रस्तो जोडणीक आदार दिवपी उदरगत आनी अर्थीक उदरगतीचें केंद्र म्हूण बंदरांचो वापर करपाखातीर ह्या वर्सा 'Goa Maritime Board' स्थापन करतले.

म्हजें सरकार 'State Maritime Waterways Master Plan' तयार करपाचे प्रक्रियेंत आसा जातूंत गोंय राज्याखातीर सगळ्या प्रकल्पांचो आस्पाव आसा आनी ताका लागून राज्यातल्या दर्यावेल्या मळार उदरगतीक आनीक वाड जातली.

सभापती महोदय, सागरमाला येवजणेखाला, मांडवी न्हंय, झुआरी न्हंय, म्हापसा न्हंय आनी कुंभारजुवा कालव्यांत 7 प्रवासी jetty redevelop करतले. हळदोणा, रायबंदर, ओल्ड गोवा, पिळगांव, बाणास्तारी, रासय आनी दुर्भाट ह्या सुवातींचेर ह्या 7 जेटींचीं कामां GSIDC वरवीं जातलीं. सागरमाला येवजणेखातीर ह्या वर्सा 10 कोटी रुपयाची तरतूद केल्या. तशेंच 14 कोटी रुपया खर्चाच्यो 10 floating jetty मे 2025 मेरेन Inland Waterways Authority of India (IWAI) च्या पालवान पुराय करतले जाका लागून राज्यांतल्या जलक्रीडा आनी पर्यटन उपक्रमांक चालना मेळटली.

सभापती महोदय, पणजे जेटीचेर चालू आशिल्लें अंत्याधुनिक 'Terminal Building' बांदकाम ऑगस्ट 2025 पयलीं पुराय जातलें आनी ताका अंदाजे 48.87 कोटी रूपया खर्च येतलो.

बोटींची Navigation त्रासाविना जावची आनी पूर स्थिती आडोवंक Dredging of Rivers सारखी कामां ह्या वर्सा चालीक लायतले. राज्यांतलीं 06 beacons आनी 15 Light Houses चें प्रगत तंत्रज्ञानांवरवीं upgradation आनी development करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटा.

सभापती महोदय, राज्यांतल्या ‘Inland Waterways’चो कार्यक्षमतेन वापर करपाच्या हेतान तशेंच पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर राज्यांतले उदकाचे क्षमते संदर्भात भारताच्या IWAI कडल्यान एक feasibility study सुरू आसा आनी affordable येरादारीखातर हीच पद्धत लागू करतले.

## RIVER NAVIGATION

सभापती महाशय, River Navigation Department खातीर 85.80 कोटी रुपयाची तरतूद केल्या.

सभापती महाशय, BOT basis ह्या तत्वाचेर तयार जाल्ल्यो दोन Ro-Ro Ferry Boats बेगिनूच जनतेच्या सेवेक येतल्यो. त्याभायर पोरण्या फेरीबोटींच्या बदलाक दोन नव्यो twin screw and single screw Ferry Boats कार्यान्वित जातल्यो. चार नव्या फेरीबोटींचेय निर्माणकार्य ह्याच वर्सा पुराय जातलें. आमच्या उदका-मार्गांचो optimum वापर करपा खातीर Pre feasibility study केल्या उपरांत राज्यांत वॉटर मेट्रो चालीक लावपाचोय प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, फेरीबोटींनी सतत आसपी कर्मचाऱ्यांचेर ताण उणो करपाक आमी 3-shift system चो अवलंब करपाचे थारायलां. त्याभायर beautification of Betim ramp आणि renovation of Slipway at Marine Workshop हीय कामां प्राधान्यक्रमान सुरू जातली. चड वर्दळीच्या जलमार्गांचेर खासगी भागीदारीतल्यान सेवांचो दर्जो सुधारपाचेरुय आमचो विचार आसा.

## CIVIL AVIATION

The allocation to Civil Aviation Department is Rs. 19.38 crores

Speaker sir, operationalization of both the Airports has led to an increase in tourism footfalls by 14%. Exports of agri produce to the extent of 3,325 metric tonnes especially baby corn, mangoes, flowers, green chillies etc has been done from Manohar International Airport . I am pleased to inform this house that the Goa Government has received Rs. 31.51 crore as revenue share from MOPA airport in just three months from December to February. Also, Manohar International Airport has won various accolades such as Best Domestic Airport 2024 and has secured a place in World's Top 100 airports in 2024. Under UDAN scheme, Goan airports will get connected to more National airports boosting connectivity and tourism in the State.

## HEALTH SECTOR

## HEALTH SERVICES

सभापती महोदय, भलायकी सेवा खात्याक रू. 857 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, AI तंत्रज्ञान वापरून "Early Detection of Lung Cancer" हो उपक्रम राज्यभर चलयतले. भलायकी खात्याचे वेगवेगळे प्रकल्प जशे STEMI for Cardiac Care आनी स्वस्थ महिला स्वस्थ गोंय प्रकल्पांचो विस्तार राज्यांतल्या चडांत चड केंद्रांत करतले. सभापती महोदय, हीं कामां 2025-26 अर्थिक वर्सा पुराय जातलीं :

1- 17.03 कोटी रूपयांचें सांगे PHC.

2- 9.67 कोटी खर्चाचें कुळेचें RMD

3- 54.99 कोटी रूपया खर्चून पेडणेचें CHC.

पर्वरी, बेतकी, बाणावली, कुंकळ्ळी, मुरगांव आनी मडकय हांगसरल्या PHC पुर्नविकासाचें काम फुडल्या अर्थीक वर्सा सावन सुरू जातलें. तशेंच पणजी शारांतल्या भलायकी केंद्राची उदरगत आनी रिवणाची RMD बांदप हींय कामां सुरू करतले. ह्या सगळ्या कामां खातीर एकूण भांडवल खर्च म्हूण 61.39 कोटी रुपयांची पुरवण भलायकी खात्याक केल्या.

सभापती महोदय, Cancer, Diabetes आनी cardiovascular आदी रोगांक प्रभावित करपी Lifestyle and Environmental factors वळखुपा खातीर वेगवेगळ्या नामनेच्या वैजकी संस्थांच्या पालवान longitudinal cohort research study करपा खातीर 2 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

With assistance from the Central Government, the AYUSH hospital at Dhargalim and Ayush Wellness Centre at Ribandar have been made fully operational with Unani and Siddha techniques also being started for the first time in the Health Centers across the State.

Speaker Sir, the emergency and trauma care will be strengthened by procuring additional 108 Ambulances to save the lives of patients during the critical golden hour.

Speaker sir, as declared by Union Finance Minister in her Budget Speech I propose to establish day care cancer centers in both the district Hospitals. I also propose to upgrade the manpower and facilities of Chicalim, Ponda and Canacona Hospitals and special provision of Rs 5 crore

each has been made for upgradation of both the district hospitals in the State.

## GOA MEDICAL COLLEGE

सभापती महोदय, गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाखातीर रू. 993 कोटींची तरतूद केल्या. काणकोण, कुडचडे आनी पेडणे हांगा Satellite OPDs of GMC स्थापन करतले. गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचेर भार उणो करपा खातीर टेलीमेडिसीनाक चालना दितले.

सभापती महोदय, म्हजें सरकार गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांतल्या MBBS च्या विद्यार्थ्यांखातीर नवें Boys Hostel बांदपाचो प्रस्ताव मांडटा. अर्थिक वर्स 2025-26 ह्या वर्सासावन MBBS 20, Super Speciality 5 जाल्यार नव्या Post-graduate अभ्यासक्रमाचे 2 जागे वाडयतले.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान Tata Memorial च्या सल्ल्यान फास्ट ट्रॅक तत्वाचेर 'नवें राज्य कॅन्सर इन्स्टिटट्यूट' बांदपाक सुरवात केल्या आनी ताचो अंदाजे खर्च 217.50 कोटी रूपया इतलो आसा. नवें Lecture Hall संकुलाचें उक्तावण 2025-26 ह्या अर्थिक वर्सा 39.87 कोटी रूपया खर्चून जातलें. तेच प्रमाण GMCन नव्या बिल्डिंग ब्लॉकाचें काम रोखडेंच सुरू जातलें.

125 कोटी रुपया खर्च करून अलायड हेल्थ सायन्सेस कॉलेज आनी 200 विद्यार्थ्यांखातीर हॉस्टेल आनी गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत प्रस्तावीत अत्याधुनीक Blood Bank चें बांदकाम 2025-26 ह्या अर्थिक वर्सासावन सुरू जातलें. Paediatric neonatal care unit, organ transplant centre and cardiology departments अपग्रेड आनी घटमूट करतले.

गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत 120 खाटींचो Chest and TB हॉस्पिटल ब्लॉक, 100 खाटींचें क्रिटिकल केअर हॉस्पिटल, Centre of Excellence in Endoscopic Skull Surgery स्थापन करप आनी Hospital Management Information System चालीक लावप, हीं सगळीं कामां येत्या त्या अर्थीक वर्सा सुरू जातलीं. ह्या कामांखातीर गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाक 130 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

## INSTITUTE OF PSYCHIATRY AND HUMAN BEHAVIOUR

सभापती महोदय, IPHB 80.90 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. IPHB तल्या ओपीडी आनी प्रशासन विभागाच्या विस्ताराचें काम 2025-26 ह्या वर्सासावन सुरू जातलें जाचे खातीर 13.67 कोटी रूपयांच्या भांडवल खर्चाची तजवीज केल्या.

## DENTAL COLLEGE

सभापती महोदय, दंत वैजकी महाविद्यालयाक 79 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. लोकांचे वाडटे मागणेक लागून महाविद्यालयाक नवी यंत्रणा आनी उपकरणां सयत घटमूट करतले. 8.03 कोटी रुपया खर्च करून phase-I इमारतीच्या दुरूस्तीचें काम तशेंच पदव्युत्तर विद्यार्थ्यां खातीर 15.48 कोटी रुपया खर्चून hostel बांदपाचें काम मे 2025 मेरेन पुराय जातलें.

सभापती महोदय, ह्या म्हाविद्यालयांतल्या भुरग्यांचो Internship स्टायपेंड वाडोवन एप्रिल, 2025 सावन म्हयन्याक 30 हजार रुपया करतले.

## FOOD AND DRUGS ADMINISTRATION

सभापती महोदय, अन्न आनी वखदां खात्याक 27.61 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. FDA लॅबोरेटरी खातीर लागपी Gas Chromatography आनी Infrared spectro-photometer हीं उच्च दर्जाचीं उपकरणां विकत घेवपाखातार 2.5 कोटीं रूपयांची तजवीज केल्या. Traditional Pharmacy व्यावसायिकांच्या हितांचे रक्षण करपाची व्यवस्था चालिक लावपाचेय हांव जाहिर करतां.

Strict enforcement of food regulations will be carried out and no restaurants or gadas will be allowed to operate without FDA licence which will ensure food safety of the public as well of tourists visiting Goa. Also laboratories will be set up at district levels to check food samples on a regular basis.

## INDUSTRIES AND INVESTMENT SECTOR

## INDUSTRIES, TRADE AND COMMERCE

सभापती महोदय, उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य हांचे खातीर 145.63 कोटी रूपयांची तरतूद आसा.

सभापती महोदय, RAMP हे भारत सरकाराचे MSME येवजणे खाला, 2024-25 ह्या अर्थिक वर्सासावन तीन वर्सांखातीर Skill Development खातीरच्यो अनुरूप कार्यावळी, Business Management trainings, Technological and Tourism-related trainings दिवपाखातीर वट्ट 61.57 कोटी रुपया मंजूर जाल्यात. फुडें MSME खातीर एकेच सुवातेर उपाय म्हणून 'Unified Digital Portal' सुरू करतले जें Business Facilitation Centres स्थापन करून तशेंच Women Entrepreneurship Facilitation Cell आनी गोंयांतल्या MSME कडल्यान Export वाडोवप ह्या सारक्यो वेवसायिक सुविधा प्रदान करतले.

सभापती महोदय, राज्यांतल्या Logistics वेवसायाक चालना दिवपाच्या हेतान, 'Logistics and Warehousing Policy, 2023' च्या खाला 8 नव्यो Schemes

चालीक लायतले जाचे वरवीं subsidy on fixed capital investment, interest payable on loan, upgradation of traffic tracking equipment, upgradation of logistics management software, quality improvement, skill development, reduction of stamp duty and registration fee and electricity for cold chain units अशा सुविधांची पुरवणी जातली. हे खातीर रुपया 4.73 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

Speaker Sir, for industries/organizations who are ready to invest more than Rs. 5,000 crores in the State of Goa, I propose to give them various incentives such as full SGST reimbursement for 5 years, 50% waiver on Stamp Duty and Registrations, subsidy on supply of various amenities for a period of 5 years and other such similar benefits. I also propose to give interest rebate on working capital to cashew industries who are into processing of goan cashews.

## GOA-IDC

Speaker Sir, Goa IDC has done commendable job by bringing more reforms and boosting industrial activities in the State. In order to support Goa IDC for Infrastructure Development a provision of Rs. 10 crores has been made.

सभापती महोदय, केंद्र सरकारच्या पालवान तुयां, कुंकळ्ळी, मडकय आनी वेर्णा हांगा 'Working Womens Hostel' खातीर 107.48 कोटी रुपया खर्चून hostel बांदपाच्या कामाक ह्या अर्थिक वर्सासावन सुरवात जातली.

## HUMAN RESOURCE DEVELOPMENT

सभापती महोदय, Labour and Employment खात्याचें नांव बदलून तें आतां Department of Human Resource Development अशें जातलें. ह्या खात्याची तरतूद 107.33 कोटी रुपया आसा.

सभापती महाशय, Goa Labour Welfare Board वेगवेगळ्या येवजण्यांचे लाभार्थी तशेंच गोवा बिल्डींग आनी हेर बांदकाम बोर्डाचे लाभार्थी हांकां ऑनलायन पध्दतीन अर्ज करपाक मेळचें तशेंच ताचो लाव DBT पध्दतीन थेट तांच्या बँक खात्यांत मेळचो हाचेखातीर हांव कामगार खात्याचें डिजिटलीकरण करपाचो प्रस्ताव मांडटां. गोंयचे इलेक्ट्रीशियन, प्लंबर, पेंटर, सुतार, गवंडी, फॅब्रिकेटर आदी हांचेखातीर ऑनलायन स्तराचेर मार्केट उपलब्ध करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटा, जाका लागून लोकांकूय तांचे गरजेखातीर अशा कामगारांक सोदप सोपे जातलें आनी नोंदणी केल्ल्या कामगारांक काम मेळटलें.

Speaker Sir, I propose to launch a dedicated job portal which will enable all companies in Goa to post their job vacancies on this portal and also allow Goan candidates to receive exclusive access to all the openings for the first 7 days ensuring the local talent gets the first opportunity.

## FACTORIES AND BOILERS

सभापती महोदय, Factories and Boilers खात्याखातीर 16.76 कोटी रुपयाची तजवीज आसा.

सभापती महोदय, 'Boiler Attendant Grade -II' परिक्षेखातीर गोंयचे उमेदवार पात्र जावचें म्हूण म्हजें सरकार "Boiler Attendant Course" सुरू करतलें. फॅक्टरींनी आनी हेर आस्थापनांनी गोंयच्या तरणाट्यांक Boiler Operator म्हूण रोजगार मेळचो ह्या हेतान हो कोर्स सुरू करता. वेवसायीक सुरक्षीतताय आनी भलायकी जागृताय तयार करपाचो एक भाग म्हूण शाळेंतले विद्यार्थी आनी तंत्रीक संस्थां खातीर प्रशिक्षण कार्यावळींचें आयोजन करतले जातूंत उद्देगीक सुरक्षा, वीज सुरक्षा, उजो पालोवपाची सुरक्षा, मानसीक भलायकी, आपत्ती वेवस्थापन, आपत्कालीन तयारी आदी विशयांचो आस्पाव जातलो.

सभापती महोदय, infrastructure घटमूट करपाच्या हेतान, नव्या कार्यालय इमारतीची पुनर्बांदणी डिसेंबर 2025 मेरेन पुराय जातली आनी हाका अंदाजे 14.60 कोटी रुपया खर्च येतलो. तशेंच, अंदाजे 4.77 कोटी रूपयांच्या हॉस्टेल इमारतीच्या उदरगतीचें काम डिसेंबर, 2025 वर्सा पुराय जातलें.

Speaker Sir, my Government had reduced VAT on Natural Gas from 12.5% to 4% to ensure cleaner energy use. I would like to announce that new registrations shall be given only for Boilers operating on non-polluting fuels. For the existing registered boilers operating on non-clean energy, a phase wise conversion to natural gas fuels would be notified by disincentivizing usage of polluting fuels.

## MINES

Speaker Sir, the allocation to Mines Department is Rs. 30.60 crores

सभापती महाशय, राज्यांतलो खनिज व्यवसाय Sustainable पद्धतीन परतून सुरू करपाक म्हज्या सरकारान सक्रियपणान काम केलां. आमी आतां मेरेन 12 खनिज ब्लॉक लिलाव केल्यात जातूंत 24 खाण लीज आसात, तातूंतले 2 ब्लॉक कार्यान्वित केल्यात. फुडल्या दोन म्हयन्यां भितर आनीक 2 ब्लॉक सुरू करतले आनी त्याभायर 3 ब्लॉकांक पर्यावरणीय मंजुरी मेळ्ळ्या आनी नियोजित वेळार

कार्यरत जातले. फुडें आमी चौथ्या NITत आनीक 9 लीज लिलाव करपाची येवजण आंखल्या.

Speaker Sir, the auctioning of dump mines will commence from this year. The department has been strengthened with BHUMIJA- an end to end GPS and GIS based ore management system which has been integrated with all mining related infrastructure to regulate track and manage the movement of ore in real time. My Government has conducted a 30th e-auction of 7.5 Lakh tonnes of ore and around 12 lakh tonnes of ore will be publicly auctioned.

Speaker Sir, as regards mining of minor minerals, my Government has identified 12 zones for sand extraction in Zuari and Mandovi River. Total 185 applications have been received and Environmental Clearance has been granted. Once CRZ permission is received, permits will be given for 70% traditional and 30% non-traditional miners. Also, my Government has already increased the validity of lease from existing 5 years to 30 years for all the fresh grants and renewal of leases.

## INFORMATION TECHNOLOGY, ELECTRONICS AND COMMUNICATIONS

सभापती महाशय, Information Technology, Electronics and Communications Department खातीर 150 कोटी रुपयाची आर्थिक तरतूद केल्या.

सभापती महाशय, 'Mahila Digital Sashaktikaran Yojana', अंतर्गत म्हजे सरकार 5000 महिलांक नी:शुल्क IT training आणि awareness programs चो लाभ दिवन तांच्या सबलीकरणाचो हावेस बाळगीता.

सभापती महाशय, केंद्र सरकारच्या "Namo Drone Didi Scheme" च्या धरतेर म्हजे सरकार गोयांतल्या 100 महिलांक प्रशिक्षण दिवन "Swayampurna Drone Pilots" आणि "Swayampurna Drone Technicians" म्हण तयार करपाची मोख दवरून आसा.

सभापती महाशय, आमचे Data management बळीष्ट करपाच्या नदरेन आणि जनतेक सुरक्षित, अखंडित भौशिकसेवांचो लाभ दिवपाखातीर हांव

Public-Private Partnership च्या माध्यमातल्यान एक State-of-the-Art Data Center स्थापन करपाची प्रक्रिया चालिक लायतलों.

सभापती महाशय, जागतीक तंत्रज्ञान फुडारी जावपाच्या मळार भारताच्या दृश्टीकोनाक योगदान दिवप, Cyber Security, cloud computing आनी Data Science अशा प्रगत technology खातीर Center of Excellence ची स्थापणूक जातली, जाका लागून innovation, skill development and employment generation हांका चालना मेळटली.

सभापती महाशय, IT आनी Startup कंपन्यो चड crowded आशिल्ल्या मेट्रो शारां पासून पयस वचपाक लागल्यात म्हणून गोंयांत आयटी जाग्याची मागणी पुराय करपा खातीर, private भागीदारीन वेर्णा हांगा Global Capability Centre तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हें केंद्र राज्याची अर्थवेवस्था वाडयतलें, उच्च प्रतिभेक आकर्शीत करतलें आनी आयटी- तंत्रज्ञान उद्देगा खातीर गोंय एक केंद्र म्हूण तयार करतलें.

सभापती महाशय, सरकारात आयटी संबंदीत प्रकल्पांत गोंयच्या आयटी कंपनींचो आसपाव करपा खातीर ‘Preferential Policy’ सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. भौसाक चड संख्येन सेवा दिवपा खातीर ‘Goa Online’पोर्टल strengthen करतले.

Speaker sir, the Electronics Manufacturing Cluster has been developed as a major investment hub offering multiple benefits to industries for setting up units in the State. The Government has upgraded the infrastructure for this park by spending Rs. 161.32 crores and has attracted investments worth Rs. 341 crores and with potential employment generation for 3,600 people. A dedicated corridor to the Electronics Manufacturing Cluster will also be constructed to boost connectivity.

## SCIENCE, TECHNOLOGY AND WASTE MANAGEMENT

सभापती महोदय, ह्या खात्याक 150 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, घरनिर्माण आनी शारी वेव्हार मंत्रालयान (MoHUA) SBM 2.0 अंतर्गत 'Swachata Knowledge partner’ (SKP) मदलो एक म्हूण GWMC क आस्पावीत केला आनी GWMCच्या यत्नांची दखल NGTन घेतल्या. ताका लागून आमी कचरो वेवस्थापन मळावेल्या वेगवेगळ्या भागधारकांक प्रशिक्षण दिवपाच्या हेतान प्रशिक्षण पुराय केल्ल्याच्या प्रमाणपत्रा सयत एक Massive Online Open Courseware विकसित करतले.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान गोंयच्या कचरो संकलन संस्था आनी कंत्राटदारांक पॅनेलांत आस्पावीत करून घेवपाच्या प्रक्रियेक सुरवात केल्या. जाका लागून पंचायत आनी municipal संस्थांचो कचरो हाताळणेचो गंभीर प्रश्न प्रभावीपणान सोडोपाक मेळटलो आनी जातूंत मनीसबळ, उपयोगाच्यो वस्तू, अहवाल दिवप, segregation, disposal आनी 100 टक्के कव्हरेजी सयत ब्लॅकस्पॉट कमी करप ह्या सगळ्यांचो आस्पाव आसा. राज्यांत कोयराची भर घालपी हॉटेल मालक आनी सामान्य लोकांक चड दंड भरचो पडटलो. कुंकळ्ळी उद्देगीक वाठारांत hazardous waste स्थलांतरीत करपा खातीर फावो ती तजवीज दवरल्या. ह्या उपक्रमांनी पर्यटन क्षेत्राक आकर्शीत करपा खातीर सुंदर आनी Green Goa राखून दवरपाचो प्रयत्न करतले .

सभापती महोदय, हांव ह्या वर्सासावन गोंय राज्य remote sensing सेंटराची पुर्नस्थापना, Biotech पार्काची स्थापना आनी GI प्रमाण आनी ब्रँडिंगाखातीर GI Board स्थापन करपाचो प्रस्ताव मांडटा. गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान परिशदेंत अनुसूचीत जमाती कक्ष स्थापन करून राज्यांत अनुसुचीत जमातींच्या सामाजिक-आर्थिक उदरगतीखातीर तंत्रज्ञानाचो वापर करपाचो प्रकल्प हातांत घेवपाचो हांव प्रस्ताव दवरता.

## LEGAL METROLOGY

सभापती महाशय, Legal Metrology खातीर Rs. 15.72 crore तरतूद केल्या.

सभापती महाशय, म्हजे सरकार ह्या वर्सा केंद्र सरकारच्या जोडपालवान National Conference of Controllers of Legal Metrology आयोजित करपाचें आसा. देशभरातल्यान 150 Legal Metrology Officials एकठाय येवन ह्या क्षेत्रातल्या नव्या बदलांचेर आणि धोरणात्मक विषयांचेर भासाभास करतले.

सभापती महाशय, समाजाभीतर ग्राहक हक्क जागृतीच्या दिशेन विविध स्तरांचेर कार्यावळी आयोजित जातल्यो आणि त्याभायर जनतेच्या सुविधेखातीर Legal Metrology ची Website पुनरुज्जीवित करपाचेय निश्चित केलां.

पॅकेज्ड पदार्थ संदर्भातले उत्पादक/ पॅकेज करपी/ आयात करपी अश्या व्यक्ती आणि आस्थापनांची स्वयंपूर्ण मित्रांच्या सहकार्यान १०० टक्के नोंदणी साध्य करपाची आमी मोख दवरल्या. हातूंतल्यान आमी सामान्य लोकांक Quality and Quantity ह्या दोनूय गजालींची खात्री दिवपाचो यत्न करतले. त्याभायर ह्या खात्याचीं पणजी आणि दिवचल हांगाची कार्यालयां नव्या जाग्यांत व्हरपाचेय आमी थारायलां.

## FORESTS AND ENVIRONMENT SECTOR

## FORESTS

सभापती महोदय, रान खात्याक दिल्लें वांटप 168.49 कोटी रुपया आसा.

Speaker Sir, all the 6 wildlife sanctuaries viz. Bondla, Bhagwan Mahavir, Cotigao, Mhadei, Netravali and Salim Ali Wildlife Sanctuary will be promoted for nature trails, eco-tourism activities and cottages. ह्या कार्यावळींनी पर्यटकां मदीं 'Goa Beyond Beaches' संकल्पनेचो प्रसार जातलो. Further fruit bearing trees will be planted in forest for avoiding human animal conflicts.

सभापती महोदय, Goa Forest Development Corporation 120 हेक्टर काजू मळ्याक rejuvenate करून, पर्यावरण उद्यानां सांबाळून, Eco parks तयार करून, cottages आनी हेर local experience दिवून रान वाठारांनी पर्यटनाक चालना दिवन सक्रीयपणान वावुरता. 'Cashew Fest' कार्यावळीचें आयोजन करपाखातीर 4.5 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, रान खात्याचे Bondla आनी Chodan हांगा 5.39 कोटींचें वेगवेगळे प्रकल्प ह्या वर्सासावन चालीक लायतले.

## ENVIRONMENT

सभापती महोदय, पर्यावरण खात्याक रू. 16 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

महोदय, लोकांची जैवविविधताय नोंदणी, जैवविविधताय गार्डन, स्टार्ट अप निधी, संवर्धन उपक्रम आनी जैवविविधतायेचेर आदारीत थीम पार्क आशिल्लें नवें कॅम्पस हे सगळे तयार करपाखातीर जैवविविधताय वेवस्थापन समितीक 4 कोटी रूपयांची अर्थिक मजतीची तरतूद केल्या. गोंय राज्यांतल्या Tree Health monitor करपा खातीर तंत्रगिन्यानाचेर आदारिल्ल्या Artificial Intelligence साधनांचो उपेग करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

Goa State Wetland Authority अधिसुचोवणी केल्लो wetland आनी 'श्रम शक्ती से जल समृध्दी' हाचो संग्रहीत Management Plan तयार करपाखातीर 1 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या. 2025-26 ह्या अर्थिक वर्सासावन 'गो-वन' प्रकल्पाखाला 10 multiproduct processing facilities सुरू करतले.

सभापती महोदय, म्हजें सरकार Deltares, Netherlands आनी केंद्र सरकारचीं NIO, NIOT, NCCR आनी NCSCM हांच्या जोडपालवान **beach nourishment in Goa** ह्या विषयाचेर पायलट प्रकल्प सुरू करतलो जाका लागून रू. 1 कोटींची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, पर्यावरण खात्याच्या प्रशासकीय अधिकाराखाला आशिल्ले सगळे बोर्ड आनी प्राधिकरण हांचेकडल्यान दस्तावेज एकठांय करपाखातीर पर्यावरण GIS प्रणाली तयार करतले. आमच्या दिवाडी, वानशी सारखिल्ल्या जुव्यांची islands हांची वळख आणि अस्मिताय राखपाखातिर आणि थय responsible local investment and sustainable tourism promote जावची म्हण विशेष धोरण तयार करपाचे आमी थारायलां.

Speaker Sir, my Government has completed the process for approval of Revised CZMP, 2011 and will shortly bring the Draft CZMP 2019 for Public Consultation. The finalization of this plan will promote tourism in coastal areas and also allow the Government to take action on illegal structures in these areas.

Speaker sir, the Goa State Wetland Authority will be constituting Lake Management Committees through people's participation to prepare integrated management plans for protection of notified wetlands. A scheme for conservation and revival of Salt pans in Goa will also be formulated through Goa state Biodiversity Board. Degraded mangroves will be restored on a mission mode basis through the Board. I propose to implement a 'plastic buy back scheme' with incentives for returning plastic and stricter penalties for littering.

Speaker Sir, my Government has put in efforts to document various critical biodiversity elements such as birds, water sources, trees etc. which has created positive awareness about such subjects in public and also sensitized them about the rich resources that Goa has been blessed with.

## SWAYAMPURNA SECTOR

### Swayampurna Goa Programme

सभापती महाशय, **more governance and less Government** असो हावेस धरून तशेंच जनतेच्या दारांत शासनाच्यो येवजणो पावच्यो ह्याखातिर "स्वयंपूर्ण गोवा" कार्यावळ आमी हातांत घेतल्या. अंत्योदय, ग्रामोदय आणि सर्वोदय ची यशोगाथा निर्माण करपाक आमी लाभार्थी-कैंद्रित योजना/कार्यावळी ग्रामपंचायत आणि नगरपालिका स्तराचेर आयोजित करून जण एकल्या गोयकाराक हांचो लाभ मेळचो म्हण कार्यरत आसात. गोंय स्वयंपूर्ण करपा खातीर वेगवेगळीं धोरणां आनी कृती आराखडो तयार करपा खातीर Swayampurna Goa Board आनी Goa Institute of Future Transformation कार्यान्वीत केला.

म्हज्या सरकारान स्वयंपूर्ण मित्र, प्रस्तावित लाभार्थी आणि सामान्य जनता हांका विविध योजनांबद्दल चड म्हायती दिवपाखातिर Theme based webinars आयोजित केल्यात. फाटल्या वर्सा अश्या प्रकारचे 7 live interactions/webinars पंचायत/नगरपालिका स्तराचेर आयोजित केल्ले. ह्याय वर्सा अश्यो कार्यावळी आमी आयोजित करतले.

Swayampurna Goa Programme has continuously worked towards excellence and has made a positive impact all over the state during the last 4½ years and benefitting 5.17 lakh Goans by reaching out to the economically backward and marginalised category of people.

## PANCHAYATS

सभापती महोदय, पंचायती खात्याक दिल्लें वाटप 312.52 कोटी रुपया आसा.

सभापती महोदय, ह्या येवपी वर्सा सावन ग्राम पंचायतींच्यो सेवा ऑनलायन मोडांत उपलब्ध करतले जाची payment डिजिटल पद्दतीन जातली, जाका लागून लोकांक ह्या कामाक लागून पंचायतीक भेट दिवपाची गरज लागची ना. तशेंच हाका लागून पारदर्शकता आनी जापसालदारकी सुनिश्चीत जातली. तशेंच, थळाव्या संस्थांक grants equitably सोडटात हाची खात्री करतले आनी reforms आनी revenue generation वाडोवपा खातीर केल्ल्या यत्नांक जोडटले.

सभापती महोदय, पंचायतींतली भरती प्रक्रिया चड पारदर्शक आनी योग्यतायेचेर आदारीत करपा खातीर तातूंत बदल करतले. अर्थीक नदरेन दुबळ्या पंचायतींक आदार दिवपाखातीर रू. 8 कोटींची तरतूद केल्या. पंचायतींनी मुळाव्या सुविधांची उदरगत करपाखातीर रू. 31 कोटी नियोजीत केल्यात. ते भायर, ‘Deendayal Infrastructure Development Scheme’ येवजणे खाला पंचायत घर, पंचायती खातीर कम्युनिटी हॉल, बाजार संकुल अशे swayampurna projects खातीर रु. 5 कोटींची तजवीज केल्या. तशेंच जिल्ला पंचायतांच्या मुळाव्या साधनसुविधा उदरगती खातीर 20 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, स्वच्छ भारत मिशन (ग्रामीण) हे येवजणेखाला गांव पंचायत पांवड्यार कोयर वेवस्थापन आनी ग्रामीण वाठारांतल्या वैयक्तीक घरांक अनुदानीत दरान बायो-डायजेस्टर शौचालय ह्यो सुविधा पुरोवपाखातीर 34.33 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. भितरल्या वाठारांतल्या पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर गांव पंचायतींनी नितळसाण सांबाळपाची अपेक्षा आसा.

सभापती महोदय, पंच वांगड्यांक 1,000 रुपयान आनी सरपंच आनी जिला पंचायती वांगड्यांक 2,000 रुपयान  मानधन वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## AGRICULTURE

सभापती महोदय, शेती खात्याक 306.30 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, राज्यांत शेती उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवपाचे नदरेन "गोवा राज्य अमृतकाल शेती धोरण, 2025" ची अंमलबाजावणी करपाखातीर 10 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. तेच प्रमाण ICAR हाणी तयार केल्लो 'Vision Document' ह्या वर्सा सावन अंमलबजावणी खातीर घेतले. खास करून भितरल्या वाठारांनी येवपी Agro tourism उपक्रमांक सरकाराचो आदार आसतलो .

सभापती महोदय, फोंडा 05, दिवचले 09, तिसवाडींत 07, सालसेतात 02, बार्देजात 08 आनी मुरगांवांत 01 अशा 32 खाजन बांदाचें 30.20 कोटी रूपया खर्चून चालू आशिल्लें काम ह्या वर्सा पुराय जातलें. तेचबरोबर तिसवाडीत 04, फोंडा 01, दिवचले 03 आनी मुरगांव तालुक्यांत 01 अशा 09 खाजन बांदाचें काम ह्या वर्सा हातांत घेतले आनी ताचे खातीर 33.44 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, इस्रायल सरकाराच्या जोडलापवान हातांत घेतिल्ल्या सेंटर ऑफ एक्सलन्सच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण मार्च 2025 त जातलें. वाळपय आनी फोंडा हांगा Agriculture Produce Export Development Authority ची मान्यताय मेळिल्ल्या कृशी घरांचेंय ह्या वर्सा उक्तावण जातलें. राज्यांतल्या शेतकारांक सेंद्रीय प्रमाणपत्र दिवपा खातीर गोंयांत APED प्रादेशिक केंद्र सुरू करतले. केपें आनी सांगे हांगासर नव्या कृशी घराचें काम ह्या वर्सासावन सुरू जातलें.

सभापती महोदय, म्हजें सरकार 'पंतप्रधान-राष्ट्रीय कृषी विकास येवजणेखाला' (RKVY) केंद्र सरकारच्या पालवान नाल्ल उत्पादनाखातीर organic खताक प्रोत्साहन दितले, जेखातीर 04 वर्सांखातीर 18.73 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

Organized पद्दतीन काजू शेती करपाक आनी बांबूचे लागवडींत संशोधन करपाखातीर म्हजें सरकार Goa Cashew Board and Goa Bamboo Board स्थापन करपाचो प्रस्ताव मांडटा.

## ANIMAL HUSBANDRY AND VETERINARY SERVICES

सभापती महोदय, पशुसंवर्धन आनी पशुवैजकी खात्याखातीर 161 कोटींची तजवीज आसा. Goa College of Veterinary Science and Animal Husbandry ह्या वर्सा सावन सुरु करपाची आमचो प्रयत्न आसा.

सभापती महोदय, Poultry उत्पादन वाडोवपा खातीर, दरांचेर नियंत्रण दवरपा खातीर आनी लोकांक दर्जेदार chicken दिवपा खातीर 'Goa Poultry Board' स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.तशेंच एक अत्याधुनीक पोल्ट्री फार्म स्थापन करपाचोय म्हजो हेतू आसा.

सांगे हांगसरल्या पशुवैजकी दवाखान्याक पुराय क्षमतेचें पशुवैजकी हॉस्पिटल करपाचोय प्रस्ताव हांव मांडटा. तशेंच पोन्न्या गोंयच्या व्हिलेज सब सेंटराक ‘पशुवैजकी दवाखानो’ करपाक सोदता जाका लागून दिवाडे, ओल्ड गोवा, गोवा वेल्हा आनी कुंभारजुवा वाठारांतल्या लोकांच्यो पशुवैजकी संदर्भांतल्यो गरजो पुराय जातल्यो. तेभायर चिखले हांगासर एक नवें ‘पशुवैजकी डिस्पेन्सरी’ बांदतले. हीं सगळीं कामां पुराय करपाखातीर, पशुसंवर्धन खात्याक रू. 7.55 कोटींची पुरवण केल्या.

Speaker Sir, the Mapusa, Honda and Curti veterinary hospitals will also be upgraded with manpower and equipment to cater to various requirements of veterinary procedures. I propose to launch Mobile Veterinary Clinics in Goa to cater to the medical attention required by animals across the State. Also, the stray dog menace will be tackled with large scale sterilization and vaccination programmes with priority in coastal belts and beaches.

## FISHERIES

सभापती महोदय, नुस्तेमारी खात्याक 72.22 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, Estuarine Fish Farm, Ela ओल्ड-गोवा हांगसरली सद्याची इमारत मोडून ताच्या जाग्यार नवी इमारत बांदपाचें काम ह्या वर्सा हातांत घेतले.

ह्या वर्सासावन राज्यांत खाऱ्या उदकांत नुस्तें पोसपा संदर्भांत वेगवेगळीं प्रगत तंत्रगिन्यानाची सुरवात करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटा. एक उपक्रम म्हूण ease of Doing Business खाला म्हजें सरकार नुस्तेमारी जहाज मालकांक नुस्तेमारी जहाजांच्या नोंदणी संबंदातल्या सगळ्या सेवांचो थेट प्रवेश मेळोवपा खातीर ‘Real Craft portalला वरवीं ऑनलायन सेवा सक्षम करतलें.

सभापती महोदय, हांव crab culture,mussel culture and seaweed culture संवर्धना खातीर आशिल्ल्या आर्थिक मजत येवजणेंत बदल करपाचो प्रस्ताव मांडटा. जातूंत vertical कल्चर सिस्टम आनी horizontal कल्चर सिस्टम हातूंत Box/Crate बसोवपा खातीर नव्या तंत्रज्ञान संकल्पनांचो आस्पाव जातलो.

सभापती महोदय, केंद्र सरकाराच्या आदारान, हांव गोंयांत नोंद जाल्ल्या सगल्या नुस्तेमारी जहाजांचेर, दर्यादेग सुरक्षा तशेंच खोल दर्यांतल्या नुस्तेमारां खातीर security आनी communication खातीर Transponder लावपाचो प्रस्ताव मांडटा. ह्या कामाखातीर अंदाजे 3.64 कोटी रुपया खर्च येतलो.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान ‘प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा येवजणे’ खाला 41.25 कोटी खर्चाचो ‘Wholesale Fish Market’ बांदपाचो प्रकल्प हातांत घेतला आनी September 2025 मेरेन तो पुराय जावपाची आस्त आसा. म्हजें सरकार सगळ्या  पात्र नुस्तेकारांक, थळाव्या लोकांक थेट नुस्तें विकपा खातीर Eco friendly fish kiosk ‘मत्स्य वाहिनी- तीन चाकी वाहन’ प्रदान करतलें.

Speaker sir, in order to provide necessary infrastructure support to fishermen,all the jetties in the state will be upgraded along with maintenance of hygiene and fish processing utilities. Also I propose to provide new Fish seedlings to the fishermen to promote aquaculture in the state.

## HANDICRAFT, TEXTILE AND COIR

सभापती महाशय, Handicraft, Textile and Coir खातीर 34.17 कोटी रुपयाची आर्थिक तरतूद केल्या.

सभापती महाशय, म्हजे सरकार हस्तकला कारगिरांखातीर Vishwakarma Kaushal Yojana आणि  Swavalamban Yojana यशस्वीपणान चलयता. कुंडय हांगाचो Coir De-fibering Plant सुसज्ज करून थय व्हड प्रमाणांत रोजगारच्यो संधी निर्माण जातल्यो. तशेंच कुंभारकामाचे प्रशिक्षण दिवपाखातीर पोरन्या मशीनां बदला नव्या आधुनीक यंत्रांचो बदल करून, वेगवेगळ्या सजावटीची उत्पादकता आनी हेर जायत्या वस्तूंची उत्पादकता वाडोवपाचोय हांव प्रस्ताव मांडटां.

सभापती महाशय, कुणबी कापडाक चालना दिवपा खातीर, सरकारी मुळाव्या शाळांच्या विद्यार्थ्यांच्या गणवेशांत टप्प्याटप्प्यान कुणबी कापडाचो आस्पाव जातलो. हे कापड हस्तकला विभागांतल्यान विद्यार्थ्यांक दिवचे असो आमचो यत्न आसा.

सभापती महाशय, गोंय राज्यांत PM Vishwakarma scheme यशस्वीरीत्या चालीक लागल्या. आता मेरेन 34,009 अर्ज येवन 18,524 जणांची नावनोंदणी जाल्या. 4,481 उमेदवारांचे पयल्या टप्प्याचे प्रशिक्षण जालां आणि 2,226 विश्वकर्मांनी रिणाचो अर्ज केला. ह्या अंतर्गत सध्या एक कोटी रुपयांची रिणां वितरित जाल्यांत.

सभापती महाशय, स्थानिक कुंभार आणि गणेशमूर्ती करपी लोकांक ‘Clay mixing machine’ घेवपाक सबसिडी योजना हांव जाहिर करतां. ‘Development of Kunbi Craft Village’ चें काम उगें- सांगें हांगा जून २०२५ मेरेन पुराय जातलें.

## ANTYODAY GRAMODAY AND SARVODAY SECTOR

## SOCIAL WELFARE

The allocation to Social Welfare Department is Rs. 562.60 crores

सभापती महोदय, सबका साथ सबका विकास ह्या बोधवाक्यान म्हजें सरकार ह्या वर्सा सगल्या समाज कल्याण येवजणेचो लाव लोकांक दितलें. ह्या वर्सा 'DSSS' येवजणे खातीर 480 कोटी रुपया, 'मुख्यमंत्री देवदर्शन येवजण' खातीर 8.50 कोटी रुपया आनी 'Student Scholarship' ह्याखातीर 6.17 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, बांबोळी हांगासर आसपी Spinal Cord Injury Rehabilitation Centre हाका palliative care centre हाच्या प्रमाणे अर्थसहाय्य दिवपाचें जाहिर करतां.

सभापती महोदय, academic आदार घेवन 'Goa Happiness Index' तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जो राज्यांतल्या लोकांच्या एकंदर बऱ्यापणाचो आनी जिणेंतल्या समाधानाचें मुल्यांकन करतलो. अंदू समाज कल्याण खात्याच्यो आनीक 21 येवजण्यो डिजिटल करून 'Goa Online' पोर्टलाचेर ऑनबोर्ड करतले.

Speaker Sir, in order to provide decent house to Backward Classes, the Atal Asra Scheme will be revamped wherein 'Model House' will be allowed to be constructed at certain specific cost by the contractors empanelled by the Government and the amount will be paid to the contractor instead of release to the beneficiaries.

Speaker Sir, there are various legal dues of small loans of Rs.5,000 and 10,000 extended by Goa SC OBC Corporation since 1998. In order to settle this issue once and for all, waiver shall be provided for all such loans extended to various beneficiaries.

## PROVEDORIA

प्रोवदोरिया आनीक घटमूट करपाक आनी मुळावी बांदावळ आनी सुविधा वाडोवपा खातीर (अपग्रेड) रू. 33.30 ची तरतूद केल्या.

## DEPARTMENT OF TRIBAL WELFARE

सभापती महाशय, Department of Tribal Welfare खातीर Rs. 132.23 crore आर्थिक तरतूद केल्या. पर्यटकांक गांवगिऱ्या आनी पारंपारीक गोंयाची जाणविकाय मेळची हे खातीर आदिवासी संस्कृताय, खाणां-जेवण आनी परंपरेक संवसारीक पांवड्यार चालना दितले.

सभापती महाशय, “Bhagwan Birsa Munda Lakshya Siddhi Yojana” ह्या नव्या योजनेच्या माध्यमातल्यान NEET आणि JEE परीक्षेक बसपी पात्र विद्यार्थ्यांक दोन शैक्षणिक वरसांच्या coaching खातीर दर विद्यार्थ्याक Rs. 3 lakh मेरेन अर्थसहाय्य मेळटलें.

सभापती महाशय, ह्या आर्थिक वर्साभितर सकयल दिल्ले प्रकल्प पुराय करपाचो आमचो हावेस आसा:

Annexure- J : Works of Tribal Welfare Department to be completed

| Sr. No. | Name of the project / Work | Cost |
|---|---|---|
| 1 | Proposed multipurpose community hall in Nirankal Ponda | Rs. 1.63 crore |
| 2 | Major Repair of Work of the existing Community hall of Shree Dev Gurudev Saunsthan (Shri Deo Guru) at Ghongre Maina Navelim Bicholim Goa. | Rs. 0.54 crore |
| 3 | Construction of Shade & Laying of Pavers at Holy Cross in V.P. Davorlim –Dicarpale, Salcete Taluka | Rs. 0.45 crore |
| 4 | Construction of Community Hall cum Administrative Complex at Village Panchayat Rachol, Salcete Goa | Rs. 2.93 crore |
| 5 | Upgradation / Renovation of existing Community Hall at Padeli in V.P. Bhironda, Sattari Taluka | Rs. 0.28 crore |
| 6 | Development of ground at Potkem of Village Poinguinim, Canacona Taluka | Rs. 2.87 crore |
| | TOTAL | Rs. 8.70 crore |

सभापती महाशय, सकयल दिल्ले प्रकल्प ह्या वर्सा चालिक लागतले:

Annexure- K: List of Tribal Welfare projects to be taken up this year

| Sr. No. | Name of the project/ Work | Estimated Cost |
|---|---|---|
| 1 | Proposed multipurpose community Hall Village Mullem, Paroda, Salcete Goa | Rs. 2 crore |
| 2 | Construction of Mandap at Hanuman Temple at Paniwada in Ward no. 10 in V.P. Borim Taluka Ponda | Rs. 0.55 crore |
| 3 | Various Development works to the existing Crematorium in Survey No. 15/5 in Ward No . V of Village Panchayat Piligao | Rs. 0.53 crore |
| 4 | Construction of Community Hall in part of Sy. No. 82/11-A at Village Navelim, Bicholim Taluka | Rs. 2 crore |

| | TOTAL | Rs. 5.08 crore |
|---|---|---|

सभापती महाशय, फर्मागुडी हांगासर **Tribal Freedom Fighter's Museum** खातीर Rs. 15 crores खर्चून केंद्र सरकारच्या मदतीन काम ह्या वर्सा सुरू जातलें.

## WOMEN AND CHILD DEVELOPMENT

The allocation to Women & Child Development is Rs. 449.42 crores

सभापती महोदय, 'नारी शक्ती'चो भोवमान करपाच्या हेतान म्हज्या सरकारान इतिहासांत पयलेच खेपे "Gender Budget" फाटल्या वर्सा सादर केल्लें, जातूंत 13 खात्यांचो आस्पाव आसलो. होच संकल्प फुडें चालू दवरून अंदू 39 खात्यांखातीर Gender Budget Statement तयार केलां आनी हें जाहीर करपाक म्हाका अफाट खोस जाता की बायलां खातीर वट्ट खर्च अर्थसंकल्पाच्या आकाराच्या 17.4% आसा.

सभापती महोदय, म्हजें सरकार केंद्र सरकाराच्या आदारान  मेरशे हांगसर रित्या क्वॉर्टसांनी 50 कैद्यांची क्षमता आशिल्लें एक 'शक्ती सदन' बांदपाक सोदता.

